

प्रकाश वजरीकार

DN KCS
015

131

गोंय कोंकणी अकादेमी मोगाळ भेट
243, पाटो कॉलनी
पणजी - गोंय

गोवा कोंकणी अकादेमी मोगाळ भेट
243, पाटो कॉलनी
पणजी - गोंय

घट्टाण... कोणाचें?

(नाटक)

प्रकाश रमाकांत वजरीकार

गोवा कोंकणी अकादेमी

गोवा कोंकणी अकादेमी मोगाळ भेट
243, पाटो कॉलनी
पणजी - गोंय

घट्टाण... कोणाचें? नाटक	Ghattann... Konnachem? Play in Konkani
लेखक : प्रकाश रमाकांत वजरीकार	by Prakash R. Vazrikar
प्रकाशन क्र. 88	Publication No. 88
© गोवा कोंकणी अकादेमी	© Goa Konkani Akademi
पयली आवृत्ती : 2006	First Edition: 2006
उजवाडावपी : गोपाळकृष्ण पाडगांवकार सचिव, गोवा कोंकणी अकादेमी 243, पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय 403 001	Publisher : Gopalkrishna Padgaonkar Secretary, Goa Konkani Akademi 243, Patto Colony, Panaji, Goa. 403 001
मुखचित्र : श्रीधर कामत बांबोळकार	Cover Design: Shridhar Kamat Bambolkar
अक्षरजुळणी : ज्योती गांवकार	Typesetting : Jyoti Gaonkar
छापपी : रूतू ऑफसेट, वळवय, फोंडें गोंय	Printer : Rutu Offset, Volvoi, Ponda - Goa.
मोल : रू. 25/-	**Price : Rs. 25/-**

चत्राय : नाटकाच्या प्रयोगाचे, रूपकाराचे हक बरोवप्यान आपणांकडेन राखून दवरल्यात.

अकादेमीचे वतीन...

गोवा कोंकणी अकादेमी, नाटक-तियात्र ह्या प्रकाराक एक साहित्य प्रकार मानता. आयचे घडकेक कोंकणी नाटक - तियात्र हे प्रकार कोंकणी संस्कृतिचीं बळिश्ट आंगां जाल्यांत. कोंकणी समाजाक आपणालें पडबिंब दाखोवपी तें एक प्रभावी माध्यम जालां.

गोवा कोंकणी अकादेमीन 1993 ते 2006 ह्या काळांत गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारांत एकूण चवदा नाट्यमहोत्सव घडोवन हाडले. दर एका महोत्सवांत चार/पांच नाटकांवो आस्पाव आसता. तातूंत एक/दोन तियात्रांय आसतात. गोंयांत गांवांगांवानी कोंकणी नाटकां जावपाक ह्या नाट्यमहोत्सवांच्या वातावरणाचो खूब आदार जालो.

दिसान दीस कोंकणी नाटकांची मागणी वाडत आसा. अकादेमीच्या पणजे कार्यालयांतल्या पुस्तक विक्री विभागांत नाटकांची मागणी मोट्या प्रमाणांत जाता.

कोंकणी नाटकांची ही गरज भागोवपाक अकादेमीन एके खास येवजणेवरवीं एकूण चार नाटकांची आनी दोन तियात्राचीं हातबरपां पुस्तक रूपान उजवाडावपाचें थारायलें. ते खातीर कोंकणी रंगमाचयेवयल्या आयच्या आघाडेच्या अशा चार नाटककारांची आनी दोन तियात्रीस्तांची रंगमाचयेर जैतिवंत जाल्लीं नाटकां / तियात्र वेंचून काडले. ते नाटककार / तियात्रीस्त अशे, आनी तांगेलीं नाटकां / तियात्र अशे -

1. श्री. दत्ताराम कामत बांबोळकार - रंगयात्रीक
2. श्री. प्रकाश र. वजरीकार - घट्टाण... कोणाचें?
3. श्री. भरत नायक - एके रातीन... एके वातीन
4. श्री. राजय पवार - अंता अंता शिरिमंता
5. श्री. तोमाजिन्यू कार्दोज - आमी सगळे एक (तियात्र)
6. श्री. बेन एवांन्जेलिस्तो - देवाक जाय जाल्यार (तियात्र)

आयज हीं सवूय पुस्तकां एका संचान एका बरोबर उजवाडाक येता. कोंकणी रंगमाचयेखातीर अकादेमीची ही एक अप्रूप भेटवण! अकादेमीचे वतीन ही सेवा अशीच चालू उरतली.

पुंडलीक नायक

अध्यक्ष

'घट्टाण.. कोणाचें?' नाटकाचो पयलो प्रयोग, ग्रामीण विकास शिक्षण संस्था, वाळपंय – सत्तरी हे संस्थेन गोवा कला अकादमीच्या 26 वे कोंकणी नाट्यसर्तींत ता. 1 नोवेंबर 2001 दिसा, सां. 7.00 वरांचेर, मा. दिनानाथ मंगेशकार नाट्यगृह, पणजी हांगासर सादर केलो.

घट्टाणाक आकार दिवपी कलाकार

आपा	:	शाबा ना. कुडतरकार
दाय	:	पांडुरंग य. नाईक
सीमा	:	सौ. शोभा शा. कुडतरकार
विवेक	:	सुभाषचंद्र गो. गांवस
विकास	:	नितीन र. गांवस
मदलो काका	:	झिलू. ल. गांवकार
काकी	:	कु. मंजुळा माजीक
धाकटो काका	:	संदेश वि. गाडगीळ
मानवदास	:	प्रशांत तु. नाईक
फटी	:	समीर गांवस
बाबल	:	पांडुरंग कुडतरकार
कृष्णा	:	अंकुश ना. धुरी
नारू	:	सगूण ना. गांवकार
म्हसो	:	प्रभाकर कोपार्डेकार
सुकडो	:	रमेश का. सावंत
यशवंत	:	रवी कृ. गांवस
तोळयो	:	दिपक ना. कुडतरकार
सदगो	:	कृष्णा गो. गांवस
इस्क्रीव्हांव	:	गोपाळ अ. राणे
जयतू	:	सुभाष द. गांवकार
रमेश	:	दत्ताराम मयेंकार
जाण्टेलो	:	नकुळ कु. वेळुसकार
मंगेश	:	अशोक ल. गांवकार
सखा	:	राजेंद्र चोर्लेकार
नारायण	:	नारायण श्री. गांवस

बाबलो	:	भालचंद्र गांवस
तो	:	विजय व. मराठे
बायलां	:	1) कु. करूणा नाईक
		2) कु. तुळशी गांवस
		3) कु. मालिनी सावर्डेकार
		4) कु. प्राची प्र. गाडगीळ
		5) कु. नंदा मोने
		6) कु. सोनिया पवार
येसवंत	:	देऊ झोरे
गोंसाय	:	प्रा. प्रकाश पर्येकार
भुरगे	:	शुभम शा. कुडतरकार
		अभिजीत गांवकार
गावपी	:	विठ्ठल गांवस
हार्मोनियम	:	महेश गांवस
पखवाज	:	पुरूषोत्तम मळीक

दिग्दर्शक	:	प्रमोद वासुदेव म्हाडेश्वर
नेपथ्य	:	निलेश महाले
उजवाडा येवजण	:	एकनाथ महाले
पार्श्वसंगीत	:	शिवनाथ नाईक
रंगभुशा	:	गणेश शेटकार
वेशभुशा	:	रमेश पार्सेकार
व्यवस्थापक	:	डॉ. रघुनाथ धुरी
पालव	:	अंकुश डेगवेकार
		प्रकाश गांवकार
		हरिश्चंद्र गांवकार
		फटो गांवस
		रामा बागी
निर्मिती प्रमुख	:	झिलू ल. गांवकार

अंक : पयलो

: प्रवेश – पयलो :

(देखावो : एक उध्वस्त चौखांबो. कराड वाडलां, मोडके खांबे, कोळयां. काय कडेन फातर निखाळल्यात. भुरग्यांनी चित्रां भिरकटायल्यांत. कांय शिम्रलां. Danger श्री 420. A 30 का? अशी वण्टीर आसात. चौखांब्यार उबार सुवात आसा. कांय जाण घुटमळटात. एकलो कुदळ घेवन भितर सरता... एकलो जाण्टो आपा पेट्रूल घेवन सासपीत भितर सरता. थंय आनीकूय एक जाण्टो बशिल्लो आसता. कांय जाण तरनाटे पेपर वाचतात. चित्रां पळयतात. खास करून मटक्याच्यो... वेळ तिनसाजची.)

नारायण : (चित्रां पळोवन) फाल्यां शेर्त सातको येता.

येसवंत : वगी राव रे नारग्या. म्हाका सात म्हयने जाले हांव धरून खेळटा.

मंगेस : हो सात म्हयने धरून रावल्यार मार नेट सांगता. म्हाका जाले आठ म्हयने सातक्याक.

सखा : वगी राव रे मंगेसा. कितेंय पटे फोडटा? इतले म्हयने म्हणून कोणाच्यान धरून रावूं येता?

बाबलो : हय तर रे, आयच्यान रातचें. सकाळी धरूं नुजो. धांवचे पडटा बांदार.

सखा : हय तर तुका लाग्ला नारे. तो. कासवाच्या कास्ताचो.

नारायण : वग्गी रावात पळोवया. हे खुर्चेचो पांय मोडको दाखयला म्हणजे सातकोच तो.

येसवंत : सारखे पळय साडे सात बी आसत.

मंगेस : हय. साडेसाती लागल्या ती आमकां. आमचें नशीब व्हांवलें म्हादयेचे न्हंयेत.

सखा : लोकांनी गाडगे बांदल्या न्हंयचेर थंय शिरकल्या जाल्यार पळय.

मंगेस : हय, थंय शिरकोवपाक कितें ती काश्टी?

बाबलो : थंय शिरकातली आसली पूण मंगेस काश्टी खंय मारता?

सखा : तो काश्टी भिजय नासतना थिगूर खावपी.

नारायण : आरे हो जर काश्टी भिजय नासतना थिगूर खावपी मागीर शिरकातली कशी (इतंल्यान जाण्टेलो पिराय सत्तेरेक वर्सां चौखांब्यार शिरकतना, आडखळटना दिसता. ताका पळोवन...) हो पळय शेवटो शिरकालो... (सगळे हांसतात.)

जाण्टो : आरे हांसू नाकात तेका. जाण्टेलो आपो तो.

मंगेस : व्हडल्या घरांतलो तो बाबा.

सखा : हय व्हय. व्हडल्या घराचे पोकळ वाशे.

बाबलो : आनी वण्टीवयल्यान धांवतात सोशे.

येसवंत : (आपाक) आरे हो पळय धवो सोसो वयर चडोंक सोदता.

सखा : केंस पिकले दोळे फुटले तरी येंग सोडिना मारची.

नारायण : कोणाक रे तुका? (सगळे हांसतात)

जाण्टो : तुमच्या तोणान कोण गेला रे?

मंगेस : मेस्ता तुका गा कित्याक दसता?

बाबलो : हय तर रे आमी त्या जाण्ट्याक म्हुणटा. तुका न्हू.

नारायण : हय तर केंस पिकले म्हणून जाण्टो जायना.

सखा : आमचेय पिकल्यात. खेळोन खेळोन.

जाण्टो : हय आतां फकत झडपाचे उल्ल्यात! तुमकां मरे मद माल्ला. तुमचे जीबेक ना हाड.

मंगेस : आतां हाडां खावपाची उल्ल्यांत. आमचीच जालीं हाडां.

जाण्टो : हाडां जालीं तरी मद जिराना. बारीक पळयतां हांव तुमकां.

सखा : आमकां जांवय करून घेता दिसता. बारीक पळयता.

जाण्टो : हय करून घेवपाचो. पूण तुमचो दुबाव मारता.

सखा : तशे आमी भरवंश्याचे.

जाण्टो : आमी म्हणटा तो लजूय दिसना तुका? येयल्या दिसा आपा दिसलो काय तेची फकाणां करतात.

नारायण : (बाकीच्याक) कितें रे मातूय लज दिसना तुमका जाण्टयाच्या मुखार जाण्टयाची फकाणां मारताना? कलसांव घालतात मरे तुमी.. मर्द.

जाण्टो : वालो न्हेमलो म्हुणून पुरूषार्थ बदलना. मनीसपण कपड्यानी विकतें मेळ्ळें जाल्यार तें वाटेवयलें सुणे लेगीत घालपाचे कपडे.

बाबलो : वगी रावात पळोवया. आमकां बाबा केस्तावा नाकात. आमी आमचें हातरूण पळोवन पांय पसरोवया.

येसवंत : हय बाबा. हांव म्हजे कालसांव पळोवन पांय घालता.

मंगेस : सारखें पळय दिसनासतना दोनूय पांय एकेच कडेन घालशीत.

जाण्टो : (आपाचो पांय निसरता. तो पडटलो हें पळोवन) आरे आरे आपाक घट धरात रे. (आपूण धांवता. आदार दिता.. सकल हाडटा.)

आपा : (थरथरत) कोणे म्हाका खांद दिलो? दाय...दाय...

जाण्टो : ना आपा. हांव कृष्णा मेस्त.

आपा : हांव.. हांव समजलो..दायच म्हणून (पेटूल सांबाळीत) पेटूल...दाय... म्हजें घर.. म्हाजो गांव.. म्हाजो. हांव.. पेटूल सांबाळूक जाय.. गांवचे सगळें कितें भल्लां हेतून.. पेटूल... म्हाजें तें... गावाचें पेटूल.. (आपाक बसपाक दिता. आपा तकली पेटलार दवरता.)

बाबलो : वगी रावात. तोंडार्चीं बातां आनी भीक मागोन खातां.

सखा : खातलो कितें? सगळें खावन सोपयलें. आता भोंवता गांवार.

मंगेस : म्हाजो बापूय सांगी हेंच्या घरान गावांक नागयला.

येसवंत : म्हाजो आज़ो सांगी, आनी खंय सगळे हेंच्याच पोटार दिल्ले..

नारायण : म्हाजे आवयचो –

जाण्टो : घोव, मायची सून खायऱ्यांनो तवनास खंयचे कडले.. म्हाज्या बापायर्चीं बारा जोतां आनी हांव भीक मागोन खातां! असली गत तुमची. अर्द्या गांवाची ना खबर, आनी मार बुदवंत कशे बसल्यात...

सखा : हय आमी अडाणी न्हू रे आमची बुद्द धोपरांत आनी हेंची कपलांत.

जाण्टो : (तापता) आरे कपल फुटक्यांनो तुमी जेर्ची फकाणां मारतात ह्या चौखांब्यार रावोन.. ती तुमकां बिरमत फुट्टली.

बाबलो : बिरमत फुटपाक हांगा आसा कितें?

मंगेस : हय तर रे. पुराणातली वांयगी शाकेंक उपकारानात.

जाण्टो : सगळें खरें... पूण तुमकां हांव शिटकायतां... पोरांनो ... हो चौखांबो.. आनी हो आपा.. आनी ते.. थंय दिसता थंय आसलें हेचें घर. सगळें पळयलां आमी. ना ना म्हटलें तरी मनशाक चुकाना.. भोगचें पडटा सगळें हांगाच.

आपा : (उठटा...धडपडटा) हय भोगचें पडटा.. हांव भोगतां.: दोळे फुटसर.. हांव.. म्हाजे भेगणार भोगतां सोदतां... हांव म्हाकाच सोदतां हे मातयेंत. म्हाज्या पुर्वजांच्या घरांत.. म्हाज्या जाण्ट्याचे 'दांब'.. पेट्रूल आमचें.. पेट्रूल तुमचे.. हांव सांबाळटलो.. हांव बेइमान न्हू... हायेन कोणाचें कांय खावंक ना. हांव खावंक पावोंकूच ना.. म्हाका कोणाचो पयसो नाका... हांव म्हाकाच जाय.. हांव खय आसा? म्हाका कोण तरी वाट दाखयात... (निन्हळटा.. बसता. कांय वेळ वातावरण गंभीर)

नारायण : वग्गी राव तूं. सगळीं नाटकां. वाट दाखय थंय.

सखा : सोदीत सोदीत बरो भोंवता गांवार.

मगेस : आरे वाट चुकलेल्याक कोणूय वाट दाखयत. पूण वाट दिसाना तेका कोण दाखयतलो?

जाण्टो : हय. हावूय तुमकां तेंच म्हणूक सोदतालों.

सगळे : म्हणजे...?

जाण्टो : तुमच्या परस चार तरी मीर्ग हायेन चड घेतल्यात. पळयल्यात. म्हणून सांगता.. आमागेचो वगत जाला. खरें तेंच सांगतां. फट सांगीन जाल्यार फाल्यांचो सूर्या म्हाका दिसाव नाका.

बाबलो : कित्याक? तुज्याय दोळ्यांत फुल पडलें?

जाण्टो : सांगतां न्हू.. तीनं कात्रेचो वगत आसा. कोणाचे दोळे कशे फुटत सांगू नजो.

येसवंत : आमचो नंबर आजून फुटना.

मंगेस : आतां तुजो मडको वांगडाच फोडूया.

नारायण : (आपाक पळयत) ह्या गांवावयल्याचो पयलो फोडचो पडटलो. पिडा खंयची.

येसवंत : जिस्त फीट नंबर काडूंक आनी भितर सरली.

जाण्टो : आतां मात तुमचें चड जावंक लागलें. आतां आपाक आनी कितेंय म्हटल्यार हांव वगी रावचो ना.

सखा : आमी वगी रावपाक आमी तेचो पोटलो खाल्ला? तेणी खाल्ला म्हणून असो गांवार पडला. घरदार सोडून...

जाण्टो : (तिडकता) कोणी सांगलें तुमकां आपान तुमचो पोटलो खाल्लो म्हुणोन? आरे, तेन्ना तुमी सगळेच भीक माग्याच्या कास्ताचे आसले. (एकल्याक पळोवन) आरे, तुजो बापूय तांदूळ गोटो मागपाक आपाच्या दारार येतालो. आनी तूं? तुजी आवय आपागेल्या शेतांत गेल्या बगर तुमगेर पेज शिजनासली. कोणाक सांगतात रे वरीं? आं? आमकां? मेळत तेन्ना पळयतां हांव आपा दिसलो कांय माल्लीं फकाणां.. माल्ले शेकारे.. आरे तुमी कसल्या मनशाचेर तुटोन पडटात! जेका दिसना तेचे? जेणे घरदार सांबाळटा सांबाळटा सगळेंच व्हगडायलें तेचेर? जेका आमी तुमी घरच्यांनी सगळ्यांनीच वाऱ्यार घातला तेचेर? कित्याक तो अडला म्हणून? तुमच्या आवया बापायन तुमकां फकत गाळी घालपाकच शिकयलां? खाल्या जेवणाक पडमूर जालीं तीं! गांवांचें सगळेंच गांवपण व्हगडायलां तुमी? निलाजऱ्यानो, हो आपा असो कित्याक भरकटलो ते समजून घेतलां... आसा तुमकां नदर? पळोवपाक जाय तुमकां? दिसत तुमकां...

बाबलो : हांव पळयतलोंच आयज. हो पेटूल घेवन कित्याक भोंवता तो. कसल्यो सागवाती भरून भोवता तो (पेटलाक हात

घालूंक वता. हेर आबूज. जाण्टो मदी येता.)

जाण्टो : खबरदार कोणे हात घातलो तर पेटलाक. सोपूत आसा तुमकां वाठाऱ्याचो. (सगळे स्तब्ध. आपा धडपडत वता.) आरे ह्या पेटलानच तर सगळे घात घेतला. आपाचो.. घराचो.. गांवाचो... भरलेले मठयेचो.. भरलेल्या उतरांचो. आपो हे भुरगे, अजाण बाळकां तीं.. तायखिळ्या भशेन वाडल्यांत. तेकां खबर ना रे व्हडल्या घरची म्हैमा. व्हडले पणाची नीत. (सगळे कवडाळें करून बसतात) तीन कात्रेचो हो भार जाला. चाळो मेळो उखल्ला. चोरू म्हारवाचो वेळ जाला. बारा गांवच्या गांवकारांचें हे ठाणे. 21 पाट्यांची माळीं. 24 कुडींची मठी. चौखान वसऱ्यार मारल्या खुटी.. गांवचें मानाचें घर.. हय पयल्या मानाचें घर. कोणा एका काळार आपाचे पूर्वज पायल्यांनी पयशे मेजताले. घराचो वसरो - वसऱ्यावयलो शब्द.. खरो जातालो. गांव वसावळीक येतालो. आपाच्या बापायचो वारस. आपा सांबाळटलो गांवचो तांब्यापटो आनी पेटूल्य. गांवचें पेटूल पयशा अडक्याचें पेटूल. लोकांच्या घामा कश्टांचें पेटूल.. पिढ्यान पिढयो आपाच्या घरांत आसताले. कोणा काळा सावन हें चलतालें हें वाठाऱ्याक खबर. हय वाठाऱ्याक खबर आनी एके तीन कात्रेर म्हाल घराच्या मागील दारार उबो जालो राखणदार.. कोणे केल्लो भश्टाकार देवाक खबर. माल्लो तेका मानायान. भुरगो मानाय तो. मार म्हटलें मारलो काडून हुडयलो आनी फुडल्यान भितर सर जाल्यार फुडल्या वसऱ्यार दुसरो उबो. तेकाय मारलो. फाटलो - फुडलो राखणदार मारलो. लोक सांगतात जाग्यावयल्याक केन्ना दुखोवचो न्हू. जाग्यावयलो राखणदार सगळे सैर भैर जायत गेले. पॉल,

पॉल बियाचें बी लेगीत मेळना जालें. देवा सायबा आमोरेचो वेळ.. सांबाळ आमकां (हळू हळू प्रसंग बदलत वता आनी आपाचें घर दिसता. हें म्हाल घर आपा दिवाणार बसला. गांवचे दोग तिगजाण आपा वांगडा खबरो करतात. हांसत सीन सुरू जाता. फ्लॅश बॅक)

: प्रवेश दुसरो :

(पार्श्वभागाचेर गीत चालू आसा)

गांवच्या ह्या म्हालघरांत
भरलां गांवचें व्हडपण
येतो वयतो गायत वता
म्हालघराचें व्हडपण

(म्हाल घर – आपा बसला. इतल्यान गांवचे कांय जाण एकेक करून म्हालघरांत येतात...)

येसवंत : (भायल्यान साद घालता) आपोऽऽऽ आपोऽऽऽ..
आपा : आरे जालां कितें? कोण रे?
येसवंत : आपोऽऽ हांव तो येसवंत. नांगर हाडला तुमचो हांगा दवरूंक.
आपा : आरे दवर रे. तुका कोणे विचाल्लां?

येसवंत : (भितर सरता) आपो कितेंय सांग, तूं आसलो म्हुणून म्हाजी कमाशी जाली. पावस पाणी वगतार पडला. आतां पळोवया दिवपी तो. हे घेयात काराणे.. आसले घराक.

आपा : कितें रे येसवंत नांगर व्हेल्ल्याचो शिदांव घेवन आयला?

येसवंत : तशें न्हू आपा. तुमी आमकां सदांच पावपी. आतां ऐनवेळार भावान केस्तावां केलीं. नांगर गुठे हेले आनी हांव असो उबंतार पडलों. तुमच्या खातीर ती गरज भागली.

आपा : आरे गरजेक मनीस पावलो ना जाल्यार कोण पावतलो? आरे हय रे येसवंत! त्या फटीच्या चल्याचें लग्न जायत सावन फटी खंय दिसना मरे? कितलो तेंप जालो पळयल्यार फटीक.

(मसो येता)

मसो : हय. आसता तो घरा. हालीसाराक चडसो भायरूय सराना. आतां कितें? तुमी फुडाकार घेतलो म्हणून तें लेगीत जालें...!

आपा : हय रे. फटीच मातसो कुर कुर करी. आरे आंगावयलें अप्सरण निस्तारूंक नाका? आनी तसल्या वेळार जाती पाती खंय लागता? हावेंनूय फटीक मारतें घेवंक लायलें. म्हटलें जावंदी एकदां बात फाटी पडोवंदी..

येसवंत : आतां खंय चेडो जाला तेंगेर.

तोळ्यो : (धांवत धांवत येता. आपाक उलो मारीत येता.) आपो आपो एक बरी खबर. सामकी बरी खबर.

आपा : आरे कितें जालां नाचता सो असो?

तोळ्यो : आपा, ताचें कितें जालां जाणा ताचें कितें जालां जाणा...

इस्क्रीव्हांव : बायल सुटली शी दिसता हां.

मसो : आसली खरी आं. (हांसतात)

तोळ्यो : ऐ.. वगी रावात रे. आपा ती खबर न्हू आं.

मसो : मागीर सांग मरे कसली ती.

तोळयो : आपो, तुमी नवी शाळा बांदून दिवपा विशीं सरकाराकडेन उलयल्ले पळय, ती सरकार बांदून दिता खंय.

मसो : आरे, पूण तुका कशें कळ्ळें? कोणें सांगलें?

तोळयो : सरपंच गेल्लो पणजे. भाऊक मेळपाक.. भाऊन सांगलां खंय शाळा बांदता म्हणून. बरें जालें. तुमचे खातीर जालें. आनी ताचे कितें जालां जाणा.

आपा : आसूं सरपंचान केलें कितें आनी हांवेन केलें कितें. शेवटाक भुरग्यांक बसोंक, शिकोंक तरी मेळटलें.

मसो : हय आमी काय शिरी चिरूंक शकलेना. आतां तरी भुरगे शिकतात.

दाय : (गोठ्यांतल्यान भायर येत) आपो आयज पालखी न्हू. भायर काडटात दिसता. आवाज सो येता.

इस्क्रीव्हांव : हय मरे. आमकांय वचूंक जाय घरा. तयारी करूंक जाय. चला चला.

मसो : बरें आपा येता आमी.

जयतू : पालखी हरशी म्हणून पयलीं तुमच्याच दारार येतली.

तोळयो : हें म्हणून कितें विचारप जालें. म्हाल घराचो पयलो मान न्हू.

इस्क्रीव्हांव : हय तर परंपरेतल्यान तें चलत येयलां.

सगळे : बरें आपा, आमी पालखे वांगडाच परते येतात तर. (सगळे वतात. गोंसाय आनी ताचो भुरगो येता.)

गोंसाय : पाव गा सिध्दां.

सांगणे करतां : स्वामी समर्था. बरें कर. येस दी. हाती पायांकडेन भुरग्या बाळांकडेन, कामां - धंद्याकडेन, गोरवां-वासरांकडेन, घरा-दाराकडेन राखण दी. अडी-नाडी पयस कर आनी बरें कर. (शंख वाजयता) (आपाक

बिबूत लायता)

आपा : आरे... गोंसाया.. ह्या वेळार सो आयलो?

गोंसाय : काय सांगो तुका आपा. सांगतले म्हाजें कराम आनी जीव येयलो मरोंक. ह्या पोराची आवय बरी ना. दिसान दीस सुकत वयता. फाटले धा-पंदरा दीस जाले मायेराच आसा ती. चड बरी ना म्हूण रकाद येयल्लो. तेका लागून सकाळीं उठोन मावोड्या गेल्लों. परतोवन येता म्हणसर हो वगत. म्हटलें, चार घरांक पाय लावंचो. म्हाल घराचो हो पयलो मान.

आपा : आरे, हो तुजो भुरगो शाळेक बी वयता काय ना.

गोंसाय : हय आपा. शिकतात भुरगीं तुमच्या बरेपणान. आमी हे अशेंच उल्ले देवाची सेवा करीत.

आपा : हय रे. देवाची सेवा केन्ना फुकट वचना. दिता देव सगळ्यांक.

गोंसाय : हय. देवान बरें केल्यार पुरो पोराचे आवयक. घरदार खावंक येता. घरचें घरपण ना जायत चल्लां.

आपा : हय. वाठाऱ्याची आजून मेरेन आसा सासाय. घालतलो गूण देव. भियेव नाका.

गोंसाय : आपा. व्हनिची खूब याद येता. असल्या वगतार बऱ्या वायटाक तिचो आदार खूब आसलो आमकां. दारार येयल्याक केन्ना रिकामें हातीन धाडी नासली.

आपा : आसूं.. गोंसाया.. पुरो. त्यो यादी नाका आतां. घे... (पयशे काडून दिता.)

गोंसाय : बरें जांव. पुता, आपाच्या पायां पड. (तो पायां पडटा. दोगूय वचपाक परततात.)

आपा : राव. नाल्लाचो बोणको व्हर. (आपा नाल्ल हाडून दिता)

गोंसाय : चल रे बाबा. नाल्ल घे तो. (नाल्ल घेता) पाव रे सिध्दा. बरें कर. (वयतात)

आपा : बरें बरें म्हाकाय तयारी करूंक जाय. न्हावपा धुवपाचें उल्लां. (भितर वचूंक वता आनी कसलीशी याद जावन परतता.) दाय गोरवां येयली रे सगळीं?

दाय : (गोठ्यांतल्यान. पिराय साठेक वर्सां) ना आजून सगळीं येवंक ना. दोग पाडे आनी एक गाय उल्ल्या येवंची. खंय चुकल्यांत देवाक खबर. यो यो घेरे हो तो बळां मारता पळय. योरे दायांर यो.

आपा : (घरांत येता) सगळ्यांक दांयार येवंदी.मागीर तण घाल खुटाचें.

दाय : बरें आसा. वगत कित्याक केलो देवाक खबर. येवंक जाय आसली बेगीन. हुस्को जालो.

आपा : (घरांत येता) कोणाचो?

दाय : गोरवांचो.

आपा : हय. तुका गोरवांचो जाला आनी म्हाका...

दाय : हय, तुका कोणाचो जाला तो जाणां हांव. पूण.. गोरवांक तरी आमोरी लागता.

आपा : आमोरेचेर तरी बेगीन येवंक नाका?

दाय : आमोरेचेर घरा येतात तीं गोरवां.

आपा : भुरग्यांनी येवं नाका?

दाय : हय आमोरे पयलीं घरान येवंक जाय आसलीं. आयज आनी पालखी येवची आसा.. चेड्याचें बरें आसा.

आपा : दाय, चेडूं तरी भितर सरूंक नाका आसलें? शेण-शितोडो तेलवात कोण करतलो... आमोरेचेर तुळशीक दिवो लावंक जाय.

दाय : तुका दिसता. तूं पळेता हें सगळें दोळ्या देखत.

आपा : दिसना म्हणूनच अडलो न्हूं. आमचें आमचें म्हण लागीं करपाचे आनी लागींच्यानीच पैस वचपाचें असली गत

जाल्या.

दाय : हय हीं गोरवांय तशींच.

आपा : हांव घरच्यांची गजाल करतां दाय.

दाय : हय आतां गजालीच करपाच्यो आमी. आसा कितें आमचेकडेन आतां.

आपा : आसा सगळें. पूण पळोवं नाका? सांबाळटलो कोण? म्हाका तर सगळेंच घैरें घैरें दिसपाक लागलां.

दाय : आपो, दोळ्यांतलें फूल दोळ्यांक दिश्टी पडना. कोणे तरी दुसऱ्यानच तें दाखोवपाचें आसता आनी काडचें आसता. अशा वगतार –

आपा : आसूं आसूं. करतलो कितें? मेल्ले म्हशीक खंय बारा शेर दूध.

दाय : हय तर. येताक चुकलो तो वावांक चुकलो, वांवांक चुकलो तो धावांक चुकलो आनी धावांक चुकलो तो गावांक चुकलो.

आपा : हय सगळेंच जाण आतां गांवाक चुकल्यात.

दाय : गांवचें कित्याक, घरचे घरा पळयले न्हू आमी.

आपा : भुरगीं म्हटल्यार भुरग्यांचो पांय धड घराक ना. भावानीच घर सोडलां. येतात ते किजीलां घेवन.

दाय : हय आडवणात सांडलेल्या गोरवां भशेन. म्हार्जी गोरवां उरल्यां तीं म्हाका हुस्कों. आपा, मदलो चेडो हालीसरांक घरांत चड भितर सग्ना. तो खंय आसता तें हांव जाणा. हांव पळयतां ह्या आठ धा म्हयन्याक चडसो तो घरांतूय दिसना. आसलो जाल्यार कोणाकडेन जापूय करीना. आपलेच घुवळींत आसता.

आपा : म्हाकाय जाणवता हें. हाली तेंपार तो चड उलयना. कितेंय विचारल्यार केंच केंच करता. म्हाजेर आनी भावंडांचेरूय.

कितें जालां पोराचें देवाक खबर. व्हडलो जगार भोंवता. जगाच्या कल्याणाक. हो धाकलो धंदो सांबाळटा. मदलो एकमुळो जाता आनी चेडूं तर...

दाय : आपो चेडूं, हांव नकळो पूण तुज्या कानार खबर पडल्या जाल्यार. म्हज्या दोळ्यांनी काय हायें पळोवंक ना.

आपा : म्हाका दोळ्यांनी जरी सारखें दिसनासलें तरी कानार खबर पडल्या.. शाळा मास्तर खंय मरे तो. व्हडल्या घरचो. भायल्या वाड्यावयलो.

दाय : हय लोक उलयतात तशें.

आपा : बांयचें कोणय तोंड धरीत न्हंयचें कोण धरतलो? गांवच्या गांवान तरी अशें जावंक नाका आसलें. गावां भायलो जाल्यार गजाल.वेगळी आसली.

दाय : पूण भुरगो बरो. बऱ्या सभावाचो.

आपा : हय रे. पूण आमचे पडवेवयलो पेलो आनी ताटली आजून तशीच उरल्या न्हू रे.

दाय : हय. आजून कोणी ती भायर उडोवंक ना.

आपा : आनी ती उडोवं नजो. गांवच्या गावांत आनी तेंवूय अशें. हीं पोरां म्हाका मान वयर करून जगोंक दिवंची ना. तीन पोरां म्हटल्यार तीन तरेचीं जालीं. हेंचे आवय फाटल्यान हांकां वयर काडटां काडटां हांवच बुडोन गेलों. हेंचो काडयेचो आदार ना. हांव न्हावन येतां. येता तेन्ना येवंदी. (इतल्यान चली सिमा भितर येता. सिमा पिराय पंचवीस ते तीस.)

दाय : बाय येयलें. यो.

आपा : येयलें? हीच वेळ मेळ्ळी तुका भोवपाक? आयज देवीची पालखी येवपाची आसा हेंय विसल्लें?

सीमा : जाणां हांव.

आपा	:	आमोरेच्या वेळार देवाक तेलवात करूंक जाय. तुळशीकडेन दिवो लावंक जाय. कोण करतलो?
सीमा	:	जाणा हांव. हांवेनच करूंक जाय तें. लामणदिवो पेट्टा न्हू.
आपा	:	लामणदिवो घरांत आसा. तुळशीमुकार निरांजन दवरपाचें.
सीमा	:	तें दवरपाकूच तुमी म्हाका दवरल्यात न्हू?
आपा	:	चड उलोवं नाका.
दाय	:	आमोरेचेर अशें थोमण्यांनी उलोवचें न्हू बाय. देवकारें तें.
सीमा	:	घरचीं सगळीं कार्यां हांवेनूच करूंक जाय. हावें म्हणूंक ना. हांव देवाक तेलवात करिना म्हणपाक म्हाका चुकोवकूच ना. (मूरमुरत तें भितर वता) सगळेंच म्हाज्या माथ्यार. एकदीस खंय भायर सरल्यार आयकूचें पडटा. आमोरेचेर भायर सरोंक जायना. तेलवात करूंक जाय. हें जावंक जाय तें करूंक जाय. चारूय कामां केल्यार लेगीत कोणाच्या दोळ्याक दिसना. दिसतलें कशें? जाका दिसूंक जाय तेका दिसना आनी जाणी पळोवंक जाय ते खंय आसता घराक. सगळे आपआपल्याक जाय थंय वतात आनी म्हाका मात .. शी. वाज आयलो हे जीणेचो. (फणफणत भितर वता. दाय आनी आपा भायर येता.)
आपा	:	दाय, ह्यो पण्ट्यो निवळ करून दी तेजेकडेन आनी सांग तेका. पोटलो करून कोनशाक मारूंक हाडूंक ना त्यो. देवकार्याक हाडल्यात.
दाय	:	आपा, व्हडलो आनी मदलो आयज तरी येवंक जाय आसले.
आपा	:	खंय हेडटात देवाक खबर. हो व्हडलो म्हणून शिकोन सवरून कांय फायदो ना. चार पयशे जोडटा तूं. कामाक वचोन. लोकांच्या भुरग्यांक शिकयता. राव घराकडे बरे

भशेन. घर संसार कर म्हटल्यार ना.

दाय : कोण सांगी म्हाका फाटीं आनी रातच्यो बारा वरांचेर पलतड्या गांवान चुडयो घेवन भोवतालो खंय गावांतल्या भुरग्यांक घेवन.

आपा : तेका मशाल मिरवणूक म्हणटात. देशांत जाग हाडपाक भोवतात खंय ते.

दाय : हांव म्हणटा रातच्यो चुडयो घेवन कित्याक भोवोंक जाय. चाळ्या मेळ्यो वगत आनी चुकोवन खंय कीट कोणाचे तणाचे कुडयेर बी उसळ्यार .. लोकांचीं गोरवां उपाशी मरची नात.

आपा : देश जागोवपाक उठल्यात ते घर वाऱ्यार घालून, लगीन बी जावन घरा सुशेगाद राव म्हटल्यार ना. म्हणटा लगीन जावचो ना खंय आनी घर सांबाळटलो खंय.

दाय : दुसरो मदलो आसा तो तसोच. दिसभर लोकांच्या दुकानांनी भोवन पैशे एकठांय करता आनी रातभर विडयो वळच्यो तसो पैशे घेवन बसलेलो आसता.

आपा : लोकांचो पैसो तो. पिग्मीचे पैशे ते. व्यवहार करता तो. बऱ्यान केल्यार पुरो. कोणाचे वळखीन करता देवाक खबर. पूण म्हाका तेचो भंयूच दिसता.

दाय : तूं म्हणटा भंय दिसता. म्हाका जाल्यार तेजेर विश्वासूच ना. भुरगेपणांत म्हाज्या खोमसांतले पांच रूपया चोरून गडगड्यार खेळ्ळो तेन्ना सावन.

(भितरल्यान चलयेचो साद. बाबा उदक काडलां).

आपा : न्हावन घेतां पयलीं. उशीर जातलो. पालखी येवची जाली.

(आपा भितर वता)

दाय : ह्यो पण्ट्यो निवळ करून घेतां.

(पण्ट्यो पुसपाक बसता इतल्यान व्हडलो चलो विवेक

एकल्याक घेवन भितर सरता. व्हडल्याचो भेस समाज सुधारकी थाटाचो.)

विवेक : या. या बसा. एक दोन मिनींट. लगेच येतो मी.

दाय : (कदेल दिता) यो यो बस. बस. खंयसून येयला?

तो : मी इथलाच बार्देशचा. आम्ही जातो एका कार्यक्रमाला.

दाय : येयला तोच वयता म्हणून सांगपाक आनी बारदेशाचो मगा मागीर असो आडभाशेन सो.

तो : ताचें कितें आसा जाणाय. आम्ही मुंबईला स्थाईक झालोत. by the way तुमी कोण? विवेकाचे बापूय.

दाय : ना. हांव तांचो मानाय.

तो : oh!

दाय : कितें जालें? कितें इसाल्लो?

तो : Oh no म्हणजे म्हाजें misinterpretation जालें.

दाय : म्हणजे कितें जालें? आमचे भाशेंत कितें जालें तें सांग.

तो : ना. ना. तशें काय न्हय. त आम्ही राष्ट्रबांदावळीच्या वावराक फुडें सरल्यात ताचीच तयारी चल्ल्या.

दाय : म्हणजे कितें?

तो : म्हळ्यार पुराय राष्ट्र एका सुत्रान बांदपाक सगळ्यांक एकठांय हाडपाक भायर सरतात. मोठा वावर हा. ताचोच वाटो म्हणून आनी थोड्या दिसांनी आमी सायकली घेवन भायर सरपाचे आसात.

दाय : सायकली घेवन म्हणून राष्ट्र बांदू येता? हांव हो पळय पायांनी गोग्वांनी भोवल्यार सगळीं गोरवां गोठ्यांत खंय येतात?

तो : तुका कळपाचें ना तें.

दाय : आमकां कळनासतना तुमी आमकां एकठांय बांदतले?

गोरवांक सुद्दां कळटा आपल्याक बांदता ते. तेंका थातारर्ची पडटा.

तो : सांगलें न्हय तुका कळपा ना तें. खूप मोठा वावर तो.

दाय : हें खरें. दर एकल्याक आपलोच वावर मोठो दिसता. आतां आमचेच कडेन पळयात. आयज आतां देईची पालखी येवची जाली. मातशी पालखेक येवंदी मागीर चलात.

तो : हय. रावोंक जाय आसलें. खूप वर्सां जालीं पालखी पळयल्यार.

(विवेक येता.)

विवेक : चला या न्ही भायर.

तो : विवेक हो कोण तुमचो?

विवेक : मानाय तो आमचो. तीशेक वर्सां जालीं रावता आमगेर.

दाय : हांव तेका कितें म्हणी जाणाय, हो केन्ना न्हू तो परदेशी दारार येयला तेन्ना आता देईची पालखी येतली. देईक पायां पडात आनी वचात फुडें.

विवेक : ताका परदेशी म्हण्टा? तो आमचोच देशभाव.

दाय : आमकां खंय कळटा. आमचे खातीर गावां भायलो तो परदेशी. पूण येयल्या मनशाच्या ताळ्यार उदक घातल्या शिवाय वचोंक दिना.

तो : ना. ना. तशें कांय ना. गरज ना. आतांच आमी बाटल्यो पियेल्यात.

दाय : ना कशें तर आमच्यो बांयो आटूंक ना आजून. रावात. हांकां उदक घेवन येतां. तुमच्यो बाटल्यो त्यो रंगाच्यो. आमच्या उदकाक रंग ना.

विवेक : दाय, सांगलें न्हू असल्यो formalities करपाक आमकां वेळ ना.

दाय : पूण हांव म्हणटा इतलें कितें तेकलां तुमकां. देईची पालखी येवची जाली दारात आनी तुमी पावल भायर घालता.

तो : विवेक पळोवया मातशी पालखी.

विवेक : तातूत कितें आसा सगळ्यो रूटीन भोगावळी. सगळी अंधश्रध्दा आनी वेव्हार...

तो : ना मातशी पळोवया. just कुतूहल म्हणून. कितें बदल्लां काय तें?

विवेक : बदलतलें कितें. सगळें तेंच. प्रतीगामी विचार. Formalities, Time Consuming Activities. आमकां आमच्या राष्ट्र जागरणाचे रथयात्रेची तयारी करूंक जाय फुडल्या म्हयन्यान.

दाय : ना, ना आमच्या गांवांत रथ ना. भोंवता ती पालखी.

तो : तो तुका म्हणना.

विवेक : दाय, (बेजारून) आरे तुमी आजूनय पालखेकच खांद मारून आसात.

दाय : हय आपूण खांद मारल्या बगर दुसरो खांद कसो दितलो?

विवेक : हो रथ म्हणटात तो पुराय देशभर भोंवतलो आनी गाडयेचो तो रथ.

दाय : म्हणजे दोरखंडा नासतानाय रथ कशे ओडटले? तसो म्हणोन रथ वोडो येता.. धा जाणांचो उत्सव तो. धा जाणांनीच करचेलो.

(इतल्यान पालखेचें पेणें आयकूंक येता. वाजत गाजत पालखी भितर येता. दाय भितर घेता. तो कुतूहलान पळयता. जाल्यार विवेक आड नदर करता. बाकीच्या लोकांची कुजबूज..)

जाण्टेलो : जांव बाबा घराक देईचो पयलो पाय लागलो.

1 : वर्सावळीचो मान तो. आपाक चुकला?

तो : अरे वा. इथली पालखी म्हणजे वेगळाच प्रकार.

1 : हो कोण? सोयरो काय धायरो?

जाण्टो : आरे, देवी कडेन आपले परकी अशे कोण लागना. देवीक सगळे सारखे.

तो : अरे वा. हाच समतावादी विचार झाला की.

2 : कसली वादी म्हण्टा हो? आमी परखवाजाची वादी जाणा. धोलाची वादी जाणा.

3 : कसल्या आवतांची वादी म्हणतोस तूं?

तो : नाही म्हणजे हांव म्हणी..

4 : आरे हो आमचे भाशेन उलयता मरे तर?

विवेक : हेंच तें. आमची भाशा, तुमची भाशा सगळे संकुचीत विचार.

जाण्टो : अशें कशें तर? दर एकल्याची म्हुणून आपली भास आसता. देवळांतल्या भटाची भास सेपारात, प्रसाद लावपी गुरवाची भास सेपारात, घाडयाची गाराण्याची भास सेपारात.

3(तो.क) : त्या भायर आमचेकडेन मोडभास होतें. ती भास सेपारात.

तो : आरे विवेक आपण हाच model आमच्या यात्रेंत वापरला तर बरे होईल.

4 : आरे हो कितें उलयता. Model Model काय उलोवतोस तूं.

2 : हय वय आमी हेंगाडी. आमकां कळना तशें उलोवं नाकात कुरवांनी.

विवेक : तुमकां कळपाचें ना तें. आमी गजाली करतात त्यो आमच्या राष्ट्र्यात्रेच्यो.

तो : हो म्हणजे.. आमीय एक यात्रा काढण्याच्या विचारांत आहोत. संपूर्ण देशभर ... राष्ट्र.. जागरण यात्रा.. तिथं आम्ही रथ किंवा पालखी फिरवणार .. ट्रक मधून...

1 : टरकातून पालखी फिरवणार, अक्काल आहे काय नाही तुमाला?

2 : आरे आपा खंय रे.

विवेक : आसा.

2 : आसा म्हणूनच विचारतां पालखी दारांत पावली तरी?

दाय : रावात आं. पळयतां. जाली आसतली तयारी.

जाण्टेलो : हय रे चेड्या...? हालीं तुवे देवधर्म सगळे खुटयाळाक बांदला काय कितें रे?

विवेक : म्हाका हीं सगळीं फकांडां दिसतात.

जाण्टेलो : देईचीं फकाणां करचीं न्हू. सैमा येयल्या ती हांगा.

विवेक : तुमकां काय कळपाचें ना. आयज देशामुखार कितलेशेच प्रश्न आसात. ते तुमकां दिसनात.

3 : देवी सगळे प्रश्न सोडयतली. भावार्त दवर मानाचें घर तुमचें.

विवेक : आमी फकत मानपानूच घेवन आसात. आरे समता जाय. सगळे सारखे.

4 : सगळे म्हणून सारखे आसतात?

5 : हय तर. तशें पळोवक गेल्यार देईचें रूप एकूच. म्हामाय, लयराय, केळबाय.. सात जाणी भयणी त्यो. सातजणी भयणींचो एक भाव खेतोबा. एक बाटयल्ली भयण मिलाग्र.

तो : ही एक मजाच. बाटयल्ली ब्हीण.

विवेक : हेंच तें तुमचें चुकता तें. बाटाबाटी. बाटकेपणा तुमी सगळे अशेंच.

1 : धा जाणाक अशें म्हणू नाका. धा जाणांचे वायटपण बरें न्हू.

विवेक : कसलें घेवन बसल्यात. धा जाण, बारा जाण, आरे राष्ट्राचें चिंतात.

2 : हें पळय, आमी तुजीं शापतां आयकूंक हांगा येवंक ना.

3 : देईची पालखी घेवन येयल्यात.

1 : वर्सावळीप्रमाण येयल्यात.

5 : मानाचें घराणें म्हणून येयल्यात.

4 : कायदो तो गांवचो.

6 : मान घराण्याक. तुका न्हू.

1 : आपा आसा म्हुणून...

विवेक : बस्स पुरो जालें तुमचें. मानपान, धा जाण, बाराजाण. इतलो तेप वगी रावलो हांव. सोंसून. आरे, तुमी चलयल्या ती सगळी अंधश्रध्दा.. कितें अर्थ आसा तेंका?

जाण्टो : कोणय आपल्या मानाक झगडटा. हेंका वाडलेले नाका, सांडलेलें जाय.

6 : बुध्दच पाडी तेका कोण कितें करतलो?

विवेक : तुमची पुजा करचे परस हांव धा पैशे गरीबांक वाटीन.

3 : पुजा तुका करूंक कळ्ळ्यार मरे? तेका भक्ती लागता, श्रध्दा लागता.

4 : ते कितें ग म भ न काय र स त ळ.

विवेक : सगळे मेले धंदेकार. देवा धर्माच्या नावान. आरे करतातूच जाल्यार एकूच देव किंवा देवी करात. राष्ट्रभक्ती करात. भारत माता ही श्रेष्ट माता.

1 : अशें कशें तर. आमचे खंय तेतीस कोटी देव! ते म्हुणून एकूच आसूं येता? देस एक आसूं येता.

बाबल : हय तर रे, आमची मसाण देयी शेपारात, तुजी खामणी देयी शेपारात. आमचो हरवळेचो म्हादेव शेपारात, तुमचो नागेस देव शेपारात त्या भायर शिमेवयले, आड्यावयले देंवचार. लावां, भुतां, म्हारू, खेत्री, मुंजो, संमंद. प्रसाद पाकळी....

विवेक	:	प्रसाद पाकळी सगळी फटवण. बारावो, तेरावो सगळी पिशेपणा.
नारू	:	अशें कशें तर? तुमकां लागना जायत. पूण आमी खरे गावणगे. तुयें कितलेंय सांगलें म्हुणून आमी मानूंक नाका? पयली देयीचें कार्य निभायात.
रमेश	:	आमी पालखी घेवन दाराक पाय लायतात ते तुजीं शाणपणां आयकूंक न्हूं.
तोळयो	:	फाटीं हेणी गांवावयल्या भुरग्यांक फटोवंक ना? तेंका एकठांय केले आनी तेंच्या हातीन चुडयो दिल्यो. आनी बारा वरां रातीर गावांर भोंवडायलें.
विवेक	:	हेंच. तेंच तुमकां पयलीं काय कळना. ताका जागृती यात्रा म्हणटात. न्हिंदलेल्यांक जागोवपाक.
इस्क्रीव्हांव	:	आरे रातचो चाळ्या मेळ्याचो वगत आनी भुरग्यांच्या हातीन चुडयो दिवन भोंवडी काडटात. तर देवान केन्ना भोंवचें? मात तरी रीत आसा तुका? शिकला मरे तूं...?
विवेक	:	शिकला म्हुणून सांगता. तुमी देवा धर्माच्या नांवान कुड्डे जाल्यात देखून असल्यो पालख्यो घेवन भोंवतात. अर्थ नाशिल्ल्यो.
सुकडो	:	आमी कित्याक कुड्डे. फुटोवं तुजे आनी तुमी मेल्ले वारीचे कशे आयकतात कशे? आयज हो चार चौगांत आमकां कुड्डे म्हणटा, फाल्यां हो देवाकूय कुड्डो म्हणपाक फाटीं फुडें पळोवंचो ना.
जैतू	:	आसा तर बसलेली जाल्यार घेवं पळोवन. देवाक सगळें दिसता. न्हिदोवंक ना देव.
विवेक	:	आसल्यार न्हिदतोलो मरे?
जाण्टेलो	:	आरे, हो शाणपण कोणाक सांगता. हेणी आपल्या घरांतली गर्भकूड पयलीं धांपची. तेलवात बंद करची.

दाम पैसो काडून भायर उडोवचो. मागीर पळोवया देव कसो सांबाळटा तो हे मठयेक.

कृष्णा : असल्यांनी घट्टाण जातलें.

सदगो : जातलें कितें जाताच मरे. दिसना?

मसो : बापायकूच ही पोरां आयकनात. आमकां खंयचीं आयकतलीं?

फटी : हरशी आमचीं भुरगीं आमकां आयकनात जायत. पूण देवा कार्याक, मर्णा सटयेक तीं आमच्या उतराभायर नात.

विवेक : तुमचीं उतरांच पयलीं धोपरा सकयल. उतरां कपलांतल्यान येवंची पडटात.

कृष्णा : हे पळय, धोपरांतलें केन्ना धोपरांत उरना. कपलांत पावतकूच आमी तुमचोय कपाळमोक्ष करोंक फाटीं फुडें रावचे नात.

सुकडो : आमचे कडेन बामणबुध्दी करूं नाका. ह्या व्हडल्या घराक पालखेचो पयलो मानूय तुमी असोच घेतला आसतलो.

यशवंत : आनी आतां हो करता तें कितें – बामण बुध्दीच त्यो. देव आसा म्हटल्यार तेच. देवीचो पयलो मान तेकाच आनी देवूय ना अशें म्हुणून सांगपी तेच. आमकां तुमच्या तीन तोंडाचेर विश्वास ना.

फटी : दी मान जाल्यार घे मान. ना जाल्यार कोंक्या समान.

रमेश : आपा खंय तो? तेका विचारात आमी शापातां आयकूंक येयल्या काय म्हुणून...

सगळे : खंय रे तो आपा?

तोळयो : मुंबयकार येवंक नात रे? हरशी सांगतात मरे ते शाणपणा बापायचीं?

इस्क्रीव्हांव : आरे रावणांक खंय भिके दुवाळे. म्हाज्या बापायचीं बारां

जोतां हांव भिक मागोन खातां. असली गत.

विवेक : आनी तुमी ही करता ती कितें? Pure अंधश्रध्दा. एकतरेची भीक मागेपणाच.

फटी : कितें देयीक तुयेन भिकारी म्हटली? येसवंत, आरे पळयतात कितें रे, हेच्या तोंडान कोण गेला रे? आनी तुमी वग्गी रावोन आयकतात? चला उखला पालखी.

विवेक : हय. उखलात व्हरात.

सदगो : आतां देयीन तुकाच उखल्ल्यार पुरो.

सगळे : बेगीन घातल्यार पुरो बारावो.

विवेक : तुमच्या ह्या विधी बद्दल उलोवपच म्हळ्यार कमीपणाचें.

येसवंत : आमी तरी तुजेकडेन उलोवपाक खंय हारेल्यात.

इस्क्रीव्हांव : तूंच न्हंय तो फाटीं गांवांतल्या भुरग्यांक एकठांय करीत भोंवतालो.

सुकडो : देव नाका, धर्म नाका म्हणून बोंबो मारतालो.

बाबल : आतां तेच भुरगे कशे वाऱ्यार पडल्यात ते पळय. आनी तूं मात आतां राष्ट्र राष्ट्र करीत आपलें पोट भरीत सुटला.

विवेक : बांयतल्या बेबकाक जग कितलें व्हडलें आसा तें कळचें ना. तीं आपलेंच जग व्हडलें म्हणटलीं.

फटी : हेऽऽ! हो आमकां बेबकां म्हणटा मरे.

मसो : आमी बेबकां? कित्याक? तुज्या फाटल्यान नाचना म्हूणून. तुजो बापूय कितलोसो नाचता? भाव कितलो सो नाचता?

सदगो : भाव नाचना कसो तर? नाचता मरे पलतडच्या वाड्यार.

विवेक : हें पळेयात आमच्या घरांत रिगपाची गरज तुमकां ना. तुमच्यो खोपी न्ह ह्यो, म्हाल घर हें.

इस्क्रीव्हांव : आमी तुमच्या घरांत रिगतां? आनी तुमी घरांसकट मनशां सोपयतात ते?

विवेक : कितें केलां आमी?

रमेश : कितें केलां? सांग रे फटी.

फटी : हांव ह्या गांवचो गांवकार मरे? म्हज्या चेड्याक फुसलोवन हलक्या जातीचें चेडूं तेच्या गळ्यांत हाडून बांदलें ना? तें कोणें केलें?

सुकडो : तें कित्याक? सोताचो येदो व्हडलो मोकासो आसतना म्हाज्या बापायची जमीन मसोंडी बांदपाक दिली आनी तेका धगाक बसयलो ना.

विवेक : तुमची येतात मरे आमच्या दारार आपल्यो कंप्लैनी घेवन? काय आमी आपोवंक वयतात?

तो : विवेक, चल या आमी.

विवेक : राव रे, हे पालखी घेवन आयल्यात काय आमच्या घराची उस्तवारी करूंक येयल्या तेंच पळयतां.

नारू : आरे, तूं कितें पळयतलो? दारांत पालखी येयल्या तिकाच पळय.

विवेक : हांव मानीना असल्या देवींक. तुमीच नाचयात.

जयतू : हो कसो मानतलो? तेच्या घरची देवी व्हडल्या वाड्यार नाचरेपणां करता न्हू रे!

विवेक : कितें म्हटलें तुवें, कितें म्हटलें तुवें? (जयतूचेर थापट मारता.)

फटी : आरे आरे तेणे हात उबारलो, आमचेर चौगांचेर हात उबारलो.

सुकडो : म्हणजे गांवाचेर हात उबारलो.

यशवंत : आरे गावांचेर कितें म्हणटात. देवीचेर हात उबारलो तेणी.

फटी : चौगांचो अपमान तो देवीचो अपमान. चलात, उखलात रे पालखी.

सगळे : हय हय उखलात.

दाय : रावात. आपा येवचो जालो. न्हातालो तो बायचेर

कृष्णा	:	न्हा म्हुणोन सांग तेका आंगभर. घराणे सगळे अशेंच न्हांव उरो.
दाय	:	कितें जालें, येता न्हू आपा.
येसवंत	:	येता? आमी दारार धा जाण येयल्यात ते कोण कुत्रे?
दाय	:	पूण आपा येता न्हूं. पुजेचो मान तेजो.
सदगो	:	मान आसा जाल्यार तो सांबाळूंक कळूंक जाय. देवीचो मान तो. अपमान जाल्लो आमी सोंसचेना.
बाबल	:	तुमकां पळोवन घेतली देयी, ती जर जाग्यार बसलेली आसल्यार तुमकां पळोवन घेंव.
फटी	:	चलात रे घेवन पालखी.
दाय	:	सांगलें न्हू, आपा येता म्हणून.
कृष्णा	:	सांग तेका, येतां घालीत घालीत यो म्हुणून.
सुकडो	:	आपा तुज्या चेड्यान बरें केलें ना.
जयतू	:	तुज्या घराक सोबलें ना.
रमेश	:	पाड पडूं तुमच्या घराचें.
म्हसो	:	देयीन पाय लांवनाका तुमच्या दारार.
फटी	:	आपा तुज्या चेड्यान बरें केलें ना. असल्यांनी घट्टाण जातलें.
आपा	:	घट्टाण... कोणाचें? (पार्श्वभागाचेर गीत)

मानाच्या घरांत
अर्धमाची करणी
तशीं पडता गाराणी
घरां घट्टाणाची

(काळोख)

: प्रवेश तिसरो :

(आपा आनी दाय वसऱ्यार बसल्यात.)

आपा : दाय, भुरग्यांची आवय आसतना केन्ना जालेंना. पालखी म्हटल्यारूच तिचेर फुलांभार. फाटलीं पंदरा वर्सां हें मात अशेंच चल्लां. ती गेल्या उपरांत.

दाय : आपा, सगळेंच आता बदलपाक लागलां. ती मातीय गेली आनी तो फुलांभारूय उणो जालो. पूण आपलो मान व्हगडावचो न्हू.

आपा : हो फकत मान नासलो दाय. ही आमची वळखूय आसली. आमच्या अस्तित्वाची कुरू. वायट दिसता म्हाका, भुरग्याच्या वाटेन भुरगीं आयकनात. भावांचे वटेन भाव. हे सगळे निमाणें कोणें सांबाळचे दाय? हीं भाटां बेसां, काजी मळां, घर-थळां जाण्ट्याचें सांबाळटा सांबाळटा नाका शेवट जालो.

दाय : कितें करतलो, आमची वार पुरल्या न्हू हे गायरीन.

आपा : दाय म्हाका भंय दिसता तो मुखावेले वारीचो, वार खायत म्हणून.

दाय : हय. वार केन्ना खावची न्हू. माल पडटा ती मागीर. पचना,

उरना आनी धराना. वंसावळीक येयना मागीर. दार्यी गवणेरूच उरतात आनी कुसतात.

आपा : म्हाजो गांव हांव वळखतां. हांव येताक चुकलों. हांव वांवाक चुकलों.. म्हाका गुन्यांव भोगस देवी...

दाय : (पायां पडटा) सायबीणी फाटलीं तीशेक वर्सां तुजो कौल चुकयलो ना आनी आयज मेळ्ळो ना.

आपा : दाय.. सगळें उक्त्या दोळ्यांनी पळोवचें पडटा. दिसाना म्हाका सारकें. पूण कळटा रे सगळें. हांव असो कुपांत पडलो. अडलो रे हांव. म्हाज्या फाटल्यान कोणे तरी घेवचो आसलो हो भार. पूण ना. सगळे आपापले वाटेन. कांय जाण पोटाफाटल्यान तर कांय जाण देशाफाटल्यान.

दाय : हय. आमी तितकेच हांगासर. तूं वसऱ्यार आनी हांव गोठ्यांत. तूं भुरग्या फाटल्यान, हांव गोरवां फाटल्यान. आजून येवंक ना बांगर पाडो.

आपा : पूण दाय, जालें तें बरें जालें ना. भुरग्यांक शिकयले सवरले तेंच वायट केलें हायेन.

दाय : (उठयत) चुकता तूं आपा. बैलाक जोताक बांदलोच म्हणून जायना. तेका वेळार गोठ्यांत बांदून घालपाचीय संवय करची पडटा. ना जाल्यार ती गांवावयलीं जातात. गोठ्याभायरीं जातात.

आपा : सगळें खरें.. पूण आतां उपाय ना.

दाय : ना कसो तर? बांद दांयांक आनी काड शेपलावन. हायें काडूंक ना? पयर पाडक्याक झोडून काडलो. म्हाजी नदर चोरून वांयगणात देंवलो तेन्ना.

आपा : दाय तुजें शेपारात रे. तुजी नदर चोरून गोरूं देंवलें. म्हजीं गोरवां म्हज्या नदरेमुखारच शेणपाक लागल्यात.

विकास : (भितर सरता) पाड पडूं मेल्यांचे. एक गजाल सारकी

वेळार दिवचें ना.

आपा : हेच्या तोंडांत गाळींशिवाय आनी कितेंच येयना. भितर सरता तो शिंवर करीत.

विकास : हांव तुका घालीना. म्हज्या मनशांक घालता.

आपा : निमणे मनशांकूच मरे? मागीर तांका घातल्यो आनी म्हाका घातल्यो तर फरक कितें?

विकास : तुका कळचे ना तें. धंद्याचें तें.

आपा : लोकांचो पंयसो तो. बेस बरो सांबाळचो.

विकास : तूं खंयच्यान खंय उलयता? लोकांचो पैसो एकठांय करता म्हणजे सांगलें न्हू Pigmy collection म्हणून.

आपा : नांव सांबाळ बाबा. पैसो तो. बऱ्याक बरो.

विकास : व्हय. तुमकां पयलीं कळना कांय आनी उलयतात मार General Manager भंशेन...

आपा : बापायफाटल्यान फाटलीं 35 वर्सां कोफ्र सांबाळ्ळ्या हायेन. ह्या घरांत केन्ना कोणाचो पैसो उणो दुणो केलो ना. आतां तुमचे बँकेचें हांव नकळो.

विकास : नकळो जाल्यार उलोवं नाका. बेश्टी तकली बेजार केली.

आपा : पैशांची गरज आसली काय तकली चलना.

विकास : आमची बेस बरी चलता. आसात आमकां बँको जाय तितलें लोन दिवपाक. तुमचे सारकें तिस्तीमेत लेगीत नाका.

आपा : हांव तिस्तीमेताचें उलयना. तिस्तीमेत घेवन मनशांनी केन्ना धंदो करचो न्हू. आपल्या जीवाचेर करचो.

विकास : हांव कोणाच्या जीवार धंदो करीना. तू म्हाका पोशिना.

आपा : हांव खंय पोसतां? हांव म्हाकाच्च सोदतां.

दाय : बाबा विकास अशें म्हणचें न्हूं!

विकास : तूं वग्गी राव थंय.

आपा : विकास, तूं दायक कितें म्हणटलो न्हू.

विकास	:	कित्याक म्हणचो ना? त्या मनशाक बसयला आमच्या माथ्यार. कोण खंयचो बेवारशी आमचेर शेक गाजयता. असो कोण लागून गेला तो आमचो?
आपा	:	तो कोण तें तुका नाका. हांव म्हाका जाय तेका ह्या घरांत बसयतलो. तुका सांगता तितलेंच कर.
विकास	:	हय परक्याकूच हाडून बसय. फाल्यां तूं मेल्यार लेगीत तुजो बुडकुलो फोडूंक तोच येतलो. जाल्ल्याक पडला आमच्या दारार येवन...
आपा	:	विकास तोंड सांबाळून उलय.
विकास	:	पयलीं तूं तोंड सांबाळून उलय. दी मान जाल्यार घे मान. ना जाल्यार...
आपा	:	विकास (थापट उबारता. विकास आपाचो हात धरत आनी धुकलून वडयता.)

(पयलो अंक सोंपता - काळोख)

अंक : दुसरो

: प्रवेश - पयलो :

(म्हालघर. आपा सूर्याक नमस्कार करता. वेळ सकाळची. विवेक पेपर वाचता. विकास भायर सरपाची तयारी करता. दाय भितर सरता. आवरा आवर चालू आसा. सीमा फकत आपाकूच च्या दिता. बाकीच्याक सांगता "च्या भितर दवरल्या.")

दाय : हार्ली गोरवां हयगय करतात. आदल्या सारकीं दायांर येयनात.

आपा : दाय गोरवांचें तशेंच. कानांत वारो भल्लो काय चौखूर उधळटात.

विकास : दाय, उधळटलीच तीं. आता बांगर जाल्यांत.

विवेक : जावपाचींच. एक वेळ गोरवां एकठांय जायत. पूण ह्या गांवांतले मनीस हं ऽ!

आपा : गावांचेर उलोवपाचो हक्क कोणाकूच ना.

विकास : उलोवं नाका कित्याक तर? गांवान आमच्या घराण्याचेर उलयल्यार जाता?

दाय : गांव तो गांव. आपा - गांवकारान सांगलां आयज सांजे कोफ्र फोडूंक तुका आफयला पेटूल घेवन. चवथ तेकली न्हूं दोन दिसांचेर.

आपा : आं? हय वचूंक जाय. चवथीक कोफ्र फोडूंक जाय.

विवेक : ही बातमी पळयात. ओरीसांत एके बायलेन भुकेपासत आपल्या तिगां भुरग्यांक बाजारांत विकूंक दवरलीं.

आपा : हय. आता खेंव येयला लोकांचेर.

विकास : विकली म्हणून जालें कितें? गरज भागली काय जाली. वाकडे मेडीक वाकडेंच नेम काडचे पडटा. (भितर वता)

दाय : काल पंचखाद्य चौखार पावोकना आनी पालखी दारांतल्यतान परथाली अशें जावंक जायनासलें.

विवेक : हांगा सगळो देशूच परथोवन पडचो जाला.

आपा : दाय सगळ्या देशाचें आपल्या आंगार घेतलें म्हणोन जायना.

विवेक : जायना कशें तर? आमीच हें सगळें करपाक जाय. ना जाल्यार आमच्या हाताभायर वयतलें सगळें.

दाय : म्हणजे तुमकाय तुमच्या हातांत कितें तरी दवरूंक जाय तर.

विवेक : जाय म्हणजे? येदे व्हडले राष्ट्रबादावळीचें कार्य अशेंच सोडपाचें?

आपा : आनी हें येदें व्हडलें घर कोणें साबाळचें?

दाय : गोरवां वासरां, शेण शितोडो करपी कोण तरी जाय न्हूं घरांत.

विवेक : हावें तुमकां हजार फावटी सांगलां आनी ह्यान फुडेंय

सांगतां की म्हाका लग्न बी जावपाचें ना. अशी फालां मारू नाका.

दाय : तुमचें बरें आसा पूण बायक तरी उजोवं नाका आसलें? वाढलेलें भुरगें वेळार उजयल्लें बरें.

विकास : (भितर सरता) सीमा लग्न जाता काय तें आपूण जावन घरांत आंकवार रावूंक सोदता तें पयलीं विचारात. हें हांव बेश्टेंच उलयना. तुमकांय खबर् आसतली.

विवेक : म्हाज्याय कानार पडल्या खबर ताची. पूण हांव तोंड बंद करून वग्गी आसलों.

दाय : आपा...

आपा : हेंका खबर आसा जाल्यार वगी कित्याक रावल्यात? कित्याक सांगीना तेका, हेंची भयण न्हू ती!

विकास : भयणीन भयण कशी रावू नाका? आमी सांगलां तेका नाचरेपणा कर म्हणून?

सीमा : (भायर येत) नाचपाक हांवेंन पायांत चाळ बांदूक ना. म्हाका खबर आसा हांव कितें करता तें.

विवेक : पूण जग लोक आमकां कितें म्हणटलो?

सीमा : तूं स्वताक राष्ट्रप्रेमी म्हणटा मरे मागीर तुजें जग इतलें ल्हान कशें जालें?

विवेक : तुका सांगतां, तू आमच्या घराण्याच्यो मर्यादा हुपता.

सीमा : हांव अडाणी न्हू मर्यादा हुपपाक. मर्यादेन वागलां म्हणून आयज मेरेन रावलां.

दाय : बाय, पूण आपूण कोण हेची वळख दवरूंक नाका?

सीमा : आनी हो भाई गांवाभायल्यांक कोणाकूय घरांत भितर हाडटा तेन्ना तुमकां तेची जात पात खबर आसता? विचारतात तुमी?

दाय : दोळ्यांआड मसण पाड.

विवेक : हांव जगलोकांक घरांत हाडटां तें घरांत दवरपाक न्हू.

सीमा : मागीर तुमी म्हाका ह्याच घरांत राव म्हणटात?

विकास : राव कोण म्हणटा पूण त्या व्हडल्या घरच्या...

सीमा : उलय मरे फुडलें. कित्याक वगी रावलो. तुज्या खातीर तो म्हारवाडो आनी तूं भायर गू खाता तो.

विकास : तूं म्हाका परती जाप दिता? (मारपाक वता)

सीमा : मार मार म्हाका. हात कित्याक फाटी घेतलो? सत्य पचना तेन्ना हात उबारता न्हू? मार मरे. सगळे जाण मारात. तुमी आनी करतले कितें? कितें जाता तुमच्यान? तुमी जाणात फकत आपआपलो अधिकार गाजोवंक आनी म्हाका मर्यादेच्या बंधनानी बांदून दवरूंक अधिकाराचो शेक गाजोवंक. आवय वचत सावन पळयतां हांव, कोणे केन्ना मायेन लक्तुबायेन लागीं केलेंना. तुमी फकत तुमची सोय आनी अधिकार पळयला. म्हज्यो भावना पळयल्यात? आवय फाटल्यान ह्या घरांत राब राब राबलें हांव. म्हाका समजोवन घेवपी असो कोणूच मेळ्ळो ना. आनी जाणे समजावन घेतलां, मनांतल्यान आपणावन घेतलां, काळजांतल्यान मानून घेतलां तो तुमचे नदरेतल्यान व्हडल्या घरचो? तुमची जात बुडोवपी. तुमचें नाक कातरपी. घरपण बुडोवपी. म्हज्यान आनी सोसू नजो हो घुस्मटमार, हो अन्याय आनी अत्याचारूय. त्या परस उडयात मारून म्हाका. मागीर म्हजो सत्याचो प्रश्नच उरचो ना. त्या प्रश्नाची जाप तुमकां पचोवची पडची ना. मारात म्हाका. म्हाका जगपाचें ना तुमचे वांगडा (रडटा) मारात म्हाका मारात म्हाका.

विकास : गांवांतल्या सगळ्या प्रश्नांक हांव पळयता. मातसो म्हजो हिशेब टेंली जावदी.

(भायर वचूंक सोदता तितल्यान ताचे मुंबयकार दोन काका आनी काकी येता. वांगडा लग्नाची पिराय हुपिल्लो आंकवार धाकटो काका आसा. सीमा तांचेकडेन पळोवन भितर वता.)

विकास : येयले वांटेकार. (विकास भायर वता.)

दाय : येयात येयात. बरे भशेन पावलें मूं? बरें जालें वर्सावळीचो घराक पाय लागलो.

मदलो काका : हय वर्सावळीचो एकदांच घरा दाराक पांय लागलो जाल्यार दारारूच रड आनी तोंडार काळोख. असल्यांनी घरांत पावल घालपाक लेगीत मन जायना.

धाकलो काका : आतां कितें आमी पोटा फाटल्यान धांवपी मनीस. घरांत रावोन पोट सारकें भरना त्या तेपार वचोन मुंबय रावले जोडीक आनी हांगा घरच्यानी घरं काडलें मोडीत.

मदलो काका : घरचीं बरीं काडीत. पूण आमी मोडूंक दिवंनाका? आजून आमकांय ह्या म्हाल घराचो धेक आसा. आमकांय व्हडपण आसा, मोठेपण आसा. आमी व्हगडोवंक ना तें. आमी पोटाफाटल्यान गेले जायत. पोट घेवन वचूंक ना.

आपा : आरे मोहन भितर सरता थंय आसा अशें अभद्र उलोवचें न्हू.

बायल : आमी कांय उलोवचे न्हू आनी घरच्यांनी आमकां पळोवन रड घालपाची. हरशीं म्हणोन ह्या घराक केन्नाय पाय लायलो जाल्यार रडूच. पळयतां हांव जायतीं वर्सां.

दाय : व्हनी तूंय बी. घराची लक्षीम तूं.

मदलो काका : दाय, हें तुवें म्हटलां तें घरच्यांनी म्हणपाक जाय आसलें. इतलीं वर्सां जालीं आमच्या लग्नाक. म्हणपाचें सोडूच मानपाकूय लोक तयार नात.

बायल : लक्षीम लक्षीम म्हटलें म्हणून भागना. तिचो तसो भौमान

करूं नाका? मान राखूंक नाका? वर्सावळीचो देवाकार्याक भितर घरांत सरता तेन्ना लेगीत मन मेकळेंपणान खंय रावोंक मेळटा? आनी जागो खंय दवरला आमकां? आमी परदेशी न्हू रे.

धाकलो काका : परदेशी कित्याक आमचीय वार हांगा ह्या गावांत पुरल्या. म्हाज्याय जाण्ट्यांचे दांब ह्या घराक आसात. आमकांय देव धर्म, जात कात लागता. घरचे इश्टेटीचेर आमचोय तितकोच अधिकार आसा. जाण्ट्या पूर्वजांचे आमचे देव आसा ह्या घरांत. आमच्याय जाण्ट्यांनी खुटी मारून मठी जोडल्या (खोमीस काडीत) हें कितें घरचे वटीच्यो खुटयो खंय? कोणे काडली म्हज्या मानाची खुटी?

विवेक : खुटयो हायेन काडून उडयल्यो. तुमचीं लक्तरां अशीं वसऱ्यार हुमकाळटात तीं म्हाका बरीं दिसनात. चार चौगजाण भितर सरतात आमच्या घरांत.

मदलो काका : घरच्या मनशापरस घराभायले व्हड मानाचे?

विवेक : काका, घरचे आसलेच म्हणोन ते व्हड जायनात. घरच्याक घरपण आनी व्हडपणय साबाळूंक येवक जाय.

आपा : विवेक चड उलोंव नाका.

धाकलो काका : कित्याक उलोंव नाका? उलोवदी ताका आनी तूं सांगलें म्हणून वगी रावपाक तुका चडूच मानतात ते. मार घराच्यो बडायो सागता मरे जाल्यार घरांत आयिल्ली पालखी परथावन लायली कित्याक?

मदलो काका : आमच्या घराण्याचो मान वगडायलो तेन्ना तुजो चेडो चड उलयता ते आयकूंक येवक ना तुका.

दाय : जाल्लें जावन गेलें. आता आमी करतले कितें? घरांत भितर सरल्यात तीं बरें भशेन रावात. देवा कार्याचे दीस.

बायल : हय आमी फकत देवा कार्याकूच भितर सरतात. पूण देवा

कार्याचो मान भौमान म्हाका खंय मेळ्ळा? आयज बारा वर्सां जालीं ह्या घराक हाडल्यार म्हाका. पळयतां हांव बारीकसाणेन. देवा कार्याक येयली जाल्यार हांव चूल घालून शिजयतां.

आपा : पूण शेपारात चूल घाला अशें हांवेंन सांगलां तुमकां?

बायल : शेपारात चूल घालात अशें कोण म्हणिनात. सगळें करण्यानी करून दाखयतात. कळटा आमकां आनी आयकोंकूय येता गांवाकडल्यान. आमी गांव सांबाळ्ळां आयज मेरेन. बऱ्यो वायट सगल्यो गजाली कळटात आमकां.

दाय : व्हनी बांयचें तोंड कोणूय धरीत. न्हंयचें कोण धरतलो? गांव तो. तोंड फुटत तशें उलयतलो. गांवचें सगलेच मनाक लावन घेतल्यार कशें जातलें?

धाकलो काका : आमी आजून मेरेन सगळें सोंसलां कित्याक, आमी वर्सां कार्यान घरा येवपी पोटा फाटल्यान मुंबय गेले. पूण गांव सोडूंक ना आजून.

आपा : आरे पूण तुमी दोगूय मुंबय वचपाक भायर सल्ले त्या वर्सा हांवेन तुमकां आडोवंक नासले. घरचें शेत भात, आंबो पणस करून खावया म्हटल्यार त्याच काळार तुमी घर सोडून गेले. गांव सोडून गेले आनी आतां तुमची फुगोवणी म्हाकाच.

मदलो काका : तेजेर कितें घालून उलयता. तांदूळ गोटो जो घरांत पिकतालो तातुंतली तूं गांव सेवा करी न्हू रे. मुड्यांच्यो मुड्यो, पायल्याच्यो पायल्यो तूं गांवार वाटी. म्हाल घरांत भात कांडूंक आयिल्ल्या बारा वायनातले अर्दे तांदूळ गांवांर वताले. राजा हरिश्चंद्राचो अवतार जाल्लो तूं आनी काम धंदो करपाक हे सरादीक आसलें कितें? आतां तर

सगल्यो जमनीय कुळांच्या मड्यार पडल्यो. खातलो किर्ते... माती?

आपा : हय मातीच. ही माती खावन रावात अशें हांवे म्हणूंक नासलें. पूण हे मातयेंत किल्लावन खावं येतालें न्हू. तुमी केन्ना नांगर हातीत धल्लो ना. भात वारें केलें ना. आंब्या पणसार चडले ना. बेश्टेच आपलें आपलें म्हटलें म्हूण भागना. सगळ्यांचेर लक्ष दवरूंक जाय.

विवेक : आतां म्हणून किर्ते तर? सगळ्याचेरूच नदर आसा. आतां कळ्ळां न्हू मातयेक दर येयल्या म्हणून.

मदलो काका : व्हय, व्हय त्याच खातीर आमी मोव मेळ्ळ्या म्हणून कोपरांनी खणटा तुजो बापूय.

धाकलो काका : दर येयल्या म्हणूच आमच्या दोळ्यांत माती हुडोवंक सोदता तुजो बापूय आनी तुमीय. पूण हांव वगी रावचो ना. म्हज्याय जाण्ट्याचें बॅस हें.

विवेक : आनी म्हज्या बापायचेंय बीन.

मदलो काका : बापायची वारी चलयतल्यान पयलीं आपलो वंश चालीक लावंक जाय.

विवेक : अशें तुवें पयलीं तुज्या भावाकच म्हणपाक जाय.

दाय : पुता.. विवेक... अशें अभद्र .. शीं SS !

मदलो काका : ह्या घरा दाराचे वांटे जाल्याबगर हांव आनी परतो दाराक पांय लावचो ना.

बायल : अंदूची चवथ जावनी. म्हाल घराचे इश्टेटीचे वांटे जावंक जाय. म्हज्या घोवान खूप वगी रावोन पळयलां. ह्यान फुडें हांव उलयतली.

विवेक : वांटे वांटे म्हणटा ती किर्ते काळगाच्यो शिरो वांटपाच्यो? तुज्या घोवाचे मार नेट सांगता ते. तुजो घोव केन्ना तुजे मुठीतल्यान भायर सरला? (मदलो आंगार धावन येता.)

दाय : रावात. हांव मातसो उलोवंक सोदतां.

धाकटो : आमकां हांगा उलोवंक मेळना. मनातलें सांगूंक मेळना. तू मानाय परदेशी ह्या घराक उरला.

आपा : कोण तो दायक परदेशी म्हणटा? दायक उलोवपाचो अधिकार कोणाक ना. ह्या घरांत आमच्या मदी जर चड उलोवपाचो अधिकार कोणाक आसत तर तो दायक. दाय उलय तूं. हांव पळेतलों तुका कोण आडायता ते.

दाय : पोरांनो ज्या घराचे वांटे करपाक तुमी आमी सगळेच झगडटात तें घर कोणा एकट्याचे न्हू. जे जमनीचे वांटे करपाक आमी झगडटात ती जमीन तरी आमी सारखे जाणात व्हय? तुमकां खबर आसा जांबळी कडले रोयणीतलो राखणदार खंय रावता तो? सोदूंक गेल्यार तुमकां सातीणाकडली पूर्वजांची कोळमी मेळटली? खंयच्या माडाक उंदीर लागला, खंयच्या कावथ्यार जोगूल पडलां तुमी केन्ना पळयलां. शिरवणांत शेरवाडाच्या पानांचो भार खंय फुलता कोणाक खबर आसा? तुमी तुमकांच धड वळखनात. ते तुमच्या भाटा बेसांक कशे वळखतले? भाट आतां भाट म्हण खंय उरलां? ती सगळीं करकां जाल्यांत. वादळ जायत जाल्यार मोडून वयतली कवळ्या सकट. म्हजी गोरवां बांदूंक जाय. गोरवां तीं दांयार येवन रावतलींच. मोन जात जाली म्हूण कितें जालें? दायांर तीं येतलींच. (वता.)

आपा : (दाय वता थंय पळोवन) हय दाय. तूंच खरेलो हे मठयेचो धनी. फाटलीं पस्तीस वर्सां तुवें हें घर जोडलां. तुजो पांय ह्या घराक लागत सावन पडींग जमीन पोसवणांक आयल्या. दाय, तुवेंच गोरवां वासरां सांबाळल्यांत. काजू मुट्टो एकठांय केला. आंब्या झाडाची बेनूल काडल्या.

शेणाची गायर भरल्या तशी उसपिल्या.

धाकलो काका : मानायच्यीं कामां मानाय करचोना जाल्यार घर मालक करतलो? आनी आमी मुंबय रावता थंय शेण शिताडो लागना. बेनूल्ल दिसना आनी आंब्या झाडूय दिसपाक कुस्तार.

मदलो काका : आमीच आयकुपाची हीं शापतां. जाण्ट्यांची मठी म्हण आयकता. हे मठयेचे वाटे जावपाक जाय.

धाकलो काका : जाण्टे घरात आसात म्हण येतात. नाजाल्यार आमी ह्या घराक पांय लावचे नासले. म्हाज्या जाण्ट्याचे दांब आसा ह्या घराक.

विवेक : जाण्टे जाण्टे म्हण पिरंगता कित्याक? निमतां काडून वांटे करपाकूच न्हय. सगळी फटींगपणा मातल्या घरांत. दाम.. थाम.. देव.. भगत.

धाकलो काका : हेंच ते हेंच तें. तुमचें उलोवप आनी करणी बादता म्हाका. जाण्टे ह्या घरात रावतले कशे? सगळें घरच भश्टलां.

आपा : हय कोणा तेपार सावन गांव वसावळीक येयत सावन ह्या म्हालघराक पयलो मान. देवा कार्याचो पैशा आडक्याचो जमीन कुडक्याचो. हें म्हालघर कोणा काळाक कोणा वेळार आमच्या जाण्ट्यानी खुटी मारून बांदलेलें. हें राजांगण आमच्या जाण्ट्यानी सोबयल्लें. गांवचो मानाचो तुरो माथ्यार खोयल्लो. 21 पाट्यांचे 21 जनेलांचे 12 वायनाचे 21 कुडींचें हें म्हालघर म्हज्या जाण्ट्यांची मिरास. म्हाजे दायज बारा पुर्वांचे हे घर म्हजें. जाण्टेल्यांच्या दांबांचे, जेचो तेचो मान मेळ्ळा. अडलेल्याक पैसे आडको मेळ्ळा. आयज कोणा काळार सावन 35 वर्सां जालीं म्हाका, गांवची कोफ्र हांवें साबाळ्ळ्या. गांवचे पेटूल साबाळून दवरलां. तायट मानेन

चल्लां. कोणाकडल्यान शी थू म्हणून घेवंक ना. आनी हें सगळे जाण्ट्यांचे पटे इश्कूर्तूला सांबाळल्यात. हांवें म्हज्या नांवार करूंक ना. जाण्ट्यांचे दायज तें. नांवार करून घेवपाचें न्हू. नांव जोडपाचें. व्हडल्या घरचे व्हडपण सांबाळपाचें. म्हणून तुमकां सांगता ह्या घराचे आनीक वांटे नाकात. ह्या घराक आनी फाटे नाकात. जमनीक मेरो नाकात. दुर्गां नाकात, आडे नाकात, सगळें मेकळें आसूंदी. सगळें सगळ्यांनी भोगूया, एकठांय रावूंया. सांगीत येयला तुमकां सांगीत रावतलो. कोण आयकनात. (भितर वता.)

(सीमाचो मोगी मानवदास.)

मानवदास : (दारावयल्यान) हांव भितर येवं? हांव भितर येवं?

विवेक : तुका भितर कोणे आफयला?

मानवदास : म्हणून हांव विचारतां हांव भितर येवं?

विवेक : कित्याक?

धाकलो काका : तूं भायल्या वाड्यावयल्या चंद्राचो चेडो मरे हरगो मरे?

मानवदास : न्हय हांव मानवदास.

विवेक : नांवां बदल्लीं म्हणून जात लिपना.

मानवदास : बदलत्या नांवा सकट आमी आमची जगपाची जात बदलल्या. हांव तुमचें फास्केंत जगपी न्हूं.

धाकटो : तू चवथीची परब मागूंक येयला मरे?

मानवदास : हांवें परबेचो अर्थ समजावन घेतला. तुमच्या दारार हांव परब मागूंक येवंक ना.

विवेक : मागीर कितें आमचे घरची चली मागपाक येयलो.

मानवदास : मागपाक न्हूं. सांगपाक येयलां.

मदलो काका : तुमकां म्हालघरांत भितर सरपाचो अधिकार कोणे दिलो?

सीमा : (भायर येयत) म्हाल घरांत भितर सरपाच्या अधिकाराची

मक्तेदारी कोणाक दिवंक ना.

धाकलो काका : हो म्हालघरांत भितर सरलो कसो?

सीमा : तूं जसो भितर सरलो तसो. आनी तुका सांगता तेका जातीवयल्यान उलोवपाचो कोणाक अधिकार ना.

मदलो काका : म्हणजे आमी घरचे आसून आमकां हो मान? आमी हाचे समान? केन्नाचें पोर गो तूं आमकां रीत शिकयता. केन्ना कोणाक कसो भितर घेवंचो ते आमी बेस बरे जाणात.

सीमा : आमी परतून सांगता जातीवेल्यान हिणसोवपाचो कोणाकूच अधिकार ना हांगा.

धाकलो काका : ना? म्हाका अधिकार ना? घर म्हंजें. म्हज्याय बापायचें जाण्टल्याच्या दांबाचे. आतां तुमी लज भाजून खावंक लागल्यात म्हणून ह्या घराची अशी दशा. आमच्या दोळ्यादेखत घरांत भितर व्हडल्या घरचो सरलो.

मानवदास : मागीर जालें कितें? हांव पूर्ण मनीस. स्वताचें स्वतंत्र अस्तित्व आशिल्लो. स्वता कामधदो करपी स्वता जोडून खावपी.

विवेक : पूण आमच्या घराण्याच्यो काय मर्यादा आसात आनी तूं गांवचो म्हणून तुकाय त्यो लागतात.

मानवदास : घराण्याच्यो मर्यादा कसल्यो जातीच्यो कातीच्यो परंपरागत? आमी तुमचे पडवेर आशिल्ल्या ग्लासांत च्या पियेवपाच्यो? ताटलेंत पेज जेवपाच्यो? हुबऱ्यार रावपाच्यो? काय सणापरबांच्यो वाडयो व्हरपाच्यो? ना. आमी ह्यो सगल्यो मर्यादा केन्नाच हुपल्यात आनी तुमच्याय मुखार पावल्यात.

विवेक : ह्यो सगल्यो मर्यादो हुपपाक तुका म्हजीच भयण गावली आनी तुमचे जातींत धर्मान कोण मेळ्ळी ना?

सीमा : ताका मेळपाक कितें हांव शेणूंक ना. तुमच्या पोकळ

राष्ट्रवादा परस ताची निर्भिड बंडखोरी म्हाका बरी दिसता.

धाकलो काका : बरें दिसता तें बरें आसताच अशें न्हू. आमच्याय घराण्याचो प्रश्न हो. आंकवार रावन पूण जाती भायर वचचो ना.

सीमा : तुज्या घराण्याचे तुजे, तुजे आनी तुजेय प्रश्न म्हाका खबर आसा. हांव स्वतंत्र आसा म्हजे निर्णय घेवपाक. म्हाका म्हणून म्हजें अस्तित्व आसा. Identity आसा.

धाकलो काका : घरांत घेवंचो ना तुकां आमच्या. तुज्या Identity ची गरज ना आमकां.

सीमा : म्हाका घरांत न घेवपाक तुमीच घरांत आसल्यार मूं?

विवेक : हांव घेवंचो ना घरांत.

सीमा : तुजें घर दिसान दीस कितलें ल्हान जायत वता हाचो विचार केला तुवें?

मानवदास : हें पळयात हांव आयज मुद्दाम हांगा आयलां तो ह्या प्रश्नाचो सोक्ष मोक्ष लावपाक. म्हाकाय म्हजो विचारपी आसा आनी सीमाक हांवे समजावन घेतलां.

विवेक : तितलें सोपें ना तें.

सीमा : कित्याक सोपें ना? आमी फकत मोगूच करूंक ना तर निर्धार केला. आयज मेरेन खूप आयकलां तुमचें. सगळें पळयलां सोसलां वगी रावलां. आता रावचें ना. म्हाका म्हण म्हजें स्वातंत्र्य आसा.

मदलो काका : पूण ह्या घराण्याक स्वतंत्र अशें अस्तित्व आसा ताचें कितें?

धाकलो काका : ह्या घराण्याची एक परंपरा आसा. तुमी वाट लायता घराण्याची. शी ऽ ऽ.

सीमा : परंपरेच्यो त्योच त्योच फास्क्यो घेवन हांव कितें करूं? म्हाकाय फुडें चलपाचें आसा. आनी कसल्या परंपरेच्यो बढायो मारतात तुमी वर्सांतल्यान घराकडेन येवन? तुमी

रावता त्या शारांत तुमकां कोण वळखता? म्हालघराचे मनीस म्हणून? तुमकां थंय फ्लॅटांनी फातराच्यो चूली घालपाक तरी मेळटात? थंय पालक्यो फ्लॅटांनी चडटात? तुमकां थंय जगतलो जाल्यार चेहरोच ना. आनी तुमी ज्या मनशांच्या गर्देंत रावतात थंय तुमकां जातीचीं लेबलां घेवन भोंवपी मनीस दिसतात? थंय फ्लॅटांनी कडाशेक व्हडल्या घरच्या खातीर वाटल्यो आनी ग्लास लायतात? आनी तू जें राष्ट्र उबारपाक भोंवता ते हें असलें मर्यादेचें? काट्या कुट्यांचे आनी जाती वर्णाचें. म्हाका तुज्या राष्ट्रवादाचोच दुबाव मारता.

मानवदास : तुमचे खातीर आमचो मोग हें आंतर जातीय आसत. तुमचे गांवचे परंपरेंत बसना जायत. तुमी पारंपारीक व्यवस्थेचे दलाल जावन वावुरतात. स्वातंत्र्य, समता, बंधुत्वाचो फकत घोषणा दिवपी. हांव म्हज्या हक्काखातीर झगडटां अशें तुमी समजशात तर ती तुमची चूक थारतली. आनी हांव तुमचे सारखो न्हयच. त्योच त्योच वांटो माड्डावपी हय त्योच त्योच वांटो. परंपरेंतल्यान चलत आयिल्ल्यो वांटो. जातीपातीच्यो, धर्मा अधर्माच्यो सुवार्थाच्यो, अहंकाराच्यो, स्वाभिमानाच्यो, फाजील अभिमानाच्यो, लोकांक गुठलावपाच्यो, राष्ट्राच्या नांवान विटो उबारपाच्यो, झोळयो फिरोवपाच्यो, जागरणां करून गरीब कश्टी लोकांक जागोवपाच्यो. पिशांच्या हातींत ताळे दिवन तेंका नाचोवपाच्यो. तुमचें एक बरें, गांव घर मोडल्यार जाता पूण राष्ट्र उबारपाक जाय. गांवच्यो जाती पाती उरपाकूच जाय. पूण राष्ट्र उबारपाक जाय. आपल्या घराच्या हुबऱ्या भितर आमकां घेवप ना. पूण राष्ट्राच्यो सीमा वाडोवंक झगडाप. तुमी तुमचे कडाशेक लायिल्ली

ताटली पेलो ही तुमचीच भूक भागोवपाक दवरल्यात. हांव जाणा त्या शिवाय तुमी जेवंकच शकना. म्हाका सगळ्यान काकूळट दिसता ती तुमच्या सारक्या राष्ट्रवादयांची, तुमच्या अभिमानाची आनी गर्वाचीय. गर्वसे कहो आमीय बी जातीयवादी.

विवेक : हांव तसो भायल्यांच्यो जाती मानीना. आमच्या घरांत देसावयलो लोक येता. आमगेर जेवन खावन वतात. ब्राह्मण, क्षत्रीय, वैश्य आनी शुद्रय सगल्या ज़ातीचे.

मानवदास : हय. सगले येतात ते तुज्या राष्ट्रवादांतले तरीय तूं तेंका जातीन वळखता. तुगेर जेवन गेल्ल्याचे अभिमानान सांगता. खऱ्यानीच म्हाका तोखणाय दिसता. तुज्या स्वाभिमानाची आनी अभिमानाचीय. हांव तुमकां तुमच्या कर्तव्याची जाणविकाय करून दितां. शक्ती बुध्दी आनी भोवमताच्या आदाराचेर जर तुमी आमकां हीन लेखपाचो वावर करूंक लागशात जाल्यारूय तुमी सांबाळून रावात. कारण आमीय आता खुदपाक लागल्यात. आमकांय आता बेस बरें कळपाक लागलां. स्वातंत्र्य आनी न्याय हांचे नातें आनी आमचें जें कितें तुमी झोंबून घेतलां तें आमी मेळयतलेच कारण आमी आमी न्हय जाल्यार काडोन वतले. लक्षांत दवरात. आतां बदल हो आमीच घडोवन हाडटले आनी तें बळगें फकत आमचेकडेनच आसा.

सीमा : मानव हे पळय हांव तुजेर भाळ्ळां तें तुज्या रूपाक लागून न्हय. तर तुज्यांतल्या मनशाक लागून. आनी तूंय हांच्याच भाशेन उलोवंक लागलो. हांच्याच सारको वागोंक लागलो. मागीर तुज्यांत आनी हांच्यात फरक तो कितें उरलो? ना मानव ना हांव तुज्या वांगडा आयलें आनी हांच्या वांगडा रावलें हातूंत फरक तो कितें? ना मानव तूं चल, चल

हांगासल्लो. (अस्वस्थ जाता)

मानवदास : हांव हांगा रावपाक येवंक ना. हांव खंयच रावपाक येवंक ना. हांव चलपाकूच आयलां. तूं म्हजे वांगडा आयल्यार आमी एकठांय चलतलीं ना जाल्यार हांव एकटोच चलतलों. चलत रावतलों. म्हाकाय म्हजी म्हणून वाट करपाची आसा. हांव फकत सांगपाक आयलां. म्हाकाय म्हंजी वाट मेळ्ळ्या. तुमच्या परस वेगळी खूप आदीची बोधी गयेची.. हांव चलपाक भायर सरलां. मनीसपणाचो पर्थून एकदां सोद घेवपाक वतां हांव...

(वता. वतना बुध्दं शरमं गच्छामीचो मंत्र आयकूंक येता.)

(तो वतना आपा येता.)

आपा : गेलो?

विवेक : ना. धांवडायलो.

मदलो काका : हांव तुकांय सांगता ह्यान फुडें देशाच्या नावान तूं कोणाकूय घरांत घेवन येवचो ना.

धाकलो काका : ह्या घरांत आमचें कूळ, देवस्थान आसा. जाण्ट्यांचे दांब आसात ह्या घरांत, त्या चंद्राच्या चेड्याकूच पळयलो मरे?

मदलो काका : एकदां बांट घालूंक दितकीच मागीर हात घालतात. कडाशेची ताटली कडाशेकूच बरी.

धाकलो काका : पयली पयलीं वाडयो मागूंक येताले मागीर म्हणटले वाडयो घालता.

मदलो काका : मागीर वाडयांच्या निमतान वाट्याक झगडटले जावय जावन.

विवेक : म्हणून हांव असल्यांक घरांत हाडटां. पूण घरांत दवरिना.

(सीमा तिडकीन भितर वता.)

मदलो काका : जांव एका अरिश्टांतल्यान सुटले. तो बोधीक काय खंय

: तो पावलो म्हणटकच आमी सुटले.

धाकटो : गेलो तो बरें जालें. ना जाल्यार आयज दोळ्यादेखत?

आपा : कितें पळयतलो आसलो? कितें जालें दोळ्यांदेखत...

सीमा : (बॅग घेवन येता.) दोळ्यादेखत खूप कितें घडटा हांगा. हांगासर सगळेच कुड्डे जाल्यात. तुजो राष्ट्रवाद कुड्डो, तुजो घरचो मोग कुड्डो, तुमीय कुड्डे. म्हाका ह्या कुड्ड्यांच्या कोसळपी म्हालघरांत रावपाचें ना. पयलीं म्हाका दिसले तो चुकता. पूण ना. तो चुकूंक ना. तो चुकूंकूच शकना. चुकलें हांव तेका वळखूंक. तुमच्या ह्या कुड्ड्यांच्या जगांत रावचेपरस नदर मेळिल्ल्या मानवदासा सांगातान वचप पसंद करीन. येता हांव.

आपा : सीमा तूं वचूं नाका.

सीमा : आपा हांव रावूं शकना. तो रावला आसतलो म्हाका. एक नवो धर्म जागोवपाचो आसा. वतां हांव.. (सीमा वता. पार्श्वभागार गीत)

गांवची ही सीमा
वलांडून जाती
घडोवपाक राया
मानव-जाती

(काळोख)

: प्रवेश - दुसरो :

(चौखांब्यार लोक बसल्यात. दादले बायलो भुरगीं. आपाक बसपाक कदेल आसा. कोफ्र फोडपाचें वातावरण. चवथी आदले दोन दीस वातावरण खोशयेचें. काल आपागेरसून पालखी परथाली तो विशय. कोफ्रीचो विशय. माटोळेचो विशय. बायलांचे विशय. नव्याचे विशय अशे कितलेशेच विशय चालू आसात.)

1 लो : येयात, येयात. लाया खाया, लाया खायात.

येसो : लाया खाया, लाया खाया म्हणटात तो पिसावला रे. अंदू कोणी लायलां शेत. पावसूय मागूस पडलो आनी चवथीक नयें काय मेळपाचें ना.

1 लो : लाया खाला लाया खाया म्हणटात तें शेत न्हू. हांव म्हणी घडघडो.

3 रो : आमचे सददया गडगडलां.

1 लो : गडगडलां काय कोसाळलां रे?

3 रो : कोंसळोवं दुस्मानाचें. म्हाजें शें कित्याक?

2 रो : कोंसळपाक तें कितें व्हडलें घर रे?

जाण्टो : शूऽऽ! वगी रावात. कित्याक कितें उलोवं नाकात. आपा येवचो जाला.

2 रो	:	हांवें आपाक म्हणूंक ना आनी तुकाय म्हणूंक ना.
फटी	:	चलात उखलात रे पालखी.
तोळयो	:	(कवितेच्या सूरांत) चलता पालखी तिचे ठांय ठांय पेणें, पालखी चलोवपी कोण पिशें कोण शाणे.
4 थो	:	पालखी चलोवपी कोण पिशे नात. देवाचो मान राखोंक कळना तेंका पालखी कित्याक?
बायल – 1	:	कितें बाये हे दादले नाक खंय आनी आदोळी खंय.
बायल – 2	:	आमकां बाये लोकांची गजाल नाका. करीत तो भरीत.
बायल – 3	:	म्हणजे कितें?
5 वो	:	कोफ्र फोडटा न्हू गे. जेणी चड भरल्या तेका चड मोटो पोटलो.
बायल – 2	:	तूं दुसऱ्याक फालां मारू नाका. तुजो पोटलो खावंक ना कोणी.
4 थो	:	आरे मातशे रावात सगळ्यांक वांटूया.
3 रो	:	कितें? दोणे काय चणे?
2 रो	:	चणे खातलो जाल्यार दांत नाकात?
1 लो	:	आता दांतूय विकते मेळटात खावपीच जाय.
3 रो	:	विकते दांत मेळटा आसत पूण विकतें हांशें मेळटा?
1 लो	:	तुका हांसपाक पयशे लागता काय कितें रे?
3 रो	:	पयशे दिल्यार लोक रडोवंक लेगीत येतात.
जाण्टो	:	वगीच विकती श्राध्दां घालूं नाकात बऱ्या कार्याक.
इस्क्रीव्हांव	:	वगी रावात वगी रावात हांव आता हिशेब वाचतां.
बायल 1	:	हे चवथीक हांव बरें वायल घेतली. निळ्या कोराचें.
बायल 2	:	म्हाजें चेडूं आनी जांवय येतलो बाये होंवसो घेवन चेडवाक होंवसोंवक जाये.
बायल 3	:	म्हाका बाये कामेऱ्याचो दिसवडो फारीक करूंक जायो.
बायल 4	:	अंदू बाये म्हजी चवथ ह्या कोफ्रीच्या पैशारूच. सात

दीस गणपती दवरूंक जाय म्हणटा. पोरूं आनी हे आमचे खूप बरे नासले म्हणून पुजा आंगयली. भट म्हणटा सया दिसा करूंया पावतले मगे पयशे? चवथुय करूंक जाय पुजाय बांदूक जाय. मिठ मिरसांग भातगोटे, तेलवात सगळे सगळें विकतें हाडचे पडटा. हे आनी हातरूणारूच आसात.

बायल 2 : आसूं गे तू भियों नाका. तो देवूच करून घेतलो सगळें.

बायल 4 : म्हणून तर तेच्या भरवश्याचेर पै पै एकठांय केल्या. पोटाक चिमटो काडून. कोणाचो आदार तरी आसा? तोय ना.

बायल 3 : हांवूय दवरतली आसली सात दीस गणपती. पूण कोफ्रीचो जूर फारीक करतानाच सोंपली. हेचो तरी आदार आसा? लोकांच्या दुकानांर बसून इडयो फुकतानाच दीस गेले. पाड पडूं म्हाज्या कर्माक.

जाण्टो : शी चवथी परबेचो अशें उलोवं नाका. भावार्त दवर. (इतल्यान आपाक घेवन दाय भितर सरता. मातशें वगत वातावरण गंभीर. परथून हिशेब सुरू जाता.)

इस्क्रीव्हांव : म्हजेकडेन हिशेब आसा त्या प्रमाण हांव वाचता. (हिशेब वाचता. चुळबूळ सुरू.) वसंत म्हाळगो गांवकार 425 रूपया देणे.

1 लो : मातसो चुकलो मरे पांच रूपयांक.

2 रो : कितें जालें?

1 लो : ज्यूस्त 425 रूपया जाले. न्हूं पांच रूपया उणे जाल्ले जाल्यार.

2 रो : कितें जावपाचें?

1 लो : तूजो बापूय जावपाचो. (बोवाळ. आपा दटायता)

आपा : हिशेब मांडटना चिकाणां नाकात.

इस्क्रीव्हांव : कृष्णा अर्जुन परब! ज्यूर फारीक करपाचो आसा. रूपया

500/-

तोळयो : शी. हे व्हडले व्हडले देव-मनीस लेगीत रिणांत पडले.

इस्क्रीव्हांव : कृष्णा अर्जून परब..

सगळे : गैर हजर.

आवाज : आनीक कोणाक खंय उरबडूंक गेला देवाक खबर.

जाण्टो : उरबडूंक काय खरवडूंक देवाक खबर.

फटी : देवाक खबर सो? हांगासर वर्साचो हिशेब चलता आनी ज्यूर कोण फारीक करतलो बापूय तेजो अर्जून.

ल्हान भुरगो : आई, कृष्णाचो बापूय अर्जून कसो रे?

बायल : वग्गी राव पळोवया. हांगा कोणाचो बापूय कोण तें म्हाका खंय पडलां?

लोक : ना. ना. पयलीं कृष्णान ज्यूर फारीक करचो पडटलो.

बायल 2 : हय तर आमी शेतां मेरेर वचोन वता, पावसा पाणयाचो जीव घालून पैसो गाठीक मारला तो लोकांच्या तोंडात घालपाक?

बायल 3 : हय तर गे बाये.

बायल 2 : बायल आनी कितें तेचीं वरां मारता.

बायल 1 : वरां कसलीं कर्माचीं? तोंडाची बातां आनी भीक मागून खातां.

5 वो : आमी हेच्या तेच्या पायां पडोन काम धंदो करून जोडटां आमचे कितें बेस आसा? येसवंतासारकें.

6 वो : येसवंताच्या मार भिरक्यार. तेचे शिजता कुंड्यार.

5 वो : आमचे गुंड्यारूय शिजना.

4 थो : शिजना जाल्यार पादोंक बरें जाता मरे?

आपा : कोण रे सुबेज उलयता? कसलींय फकांडां नाकात.

रमेश : हांव तो रमेश उलयलो. खरें तेंच उलयतां. तुज्या पुताभशेन उलोवंक ना हेंगाडेचे भाशेत. पालखी दारांतल्यान गेल्या

आमच्या.

इस्क्रीव्हांव : पालखेचो आनी कोफ्रेचो संबंद ना. हिशेबाचे पुकारो जाला तो कृष्णा परबाच्या पैशांचो. तितलेंच उलयात.

आपा : कृष्णा परबान कितले दिवचे आसात?

इस्क्रीव्हांव : 900 रूपया.

आपा : म्हज्या नांवार घाल. हांव फारीक करतां. पूण चवथीतली गांवार हावळ नाका.

इस्क्रीव्हांव : पूण आपा, फाटल्या हिशेबाच्या वेळार कांताचे आपूण 700 रूपया घातल्या म्हूण सांगलेले. अशे कितल्या लोकांचे तूंच फारीक करतलो?

2 रो : कोणाच्याय धर्मान जावं पूण पैशे पडोदी एकदा पेटलांत.

3 रो : खट खूट करता काय आमकां दुडू घालता काय शबय शबय.

रमेश : आरे घालता कोणाक खबर आसा मरे.

5 वो : हय व्हडल्या घरच्यांक.

फटी : आपा व्हडले घरचो न्हू रे.

जाण्टो : व्हडल्या घराचो न्हूं. म्हाल घरांतलो.
(बायलो कुजबुजतात)

बायल 1 : इटयलें गे बाये, असली म्हणून चेडवां. लज भीड, जात, पात दवरली ना.

बायल 2 : म्हाका असलें चेडूं जाल्लें जाल्यार हांव गळ्यात फातर बांदून बांयत धुकलपाची.

बायल 3 : पूण तुगेर सातूय चेडे न्हू गे सत्यवती.

इस्क्रीव्हांव : तारामती हरिश्चंद्र गांवकार.

बायल : ओव.

इस्क्रीव्हांव : आगे तुका उलो घालूंक ना.

बायल 2 : हांव समजलीं

इस्क्रीव्हांव	:	तारामती हरिश्चंद्र गांवकार हिका 575 रूपया मेळटात.
बायल 1	:	फुलली गे बाये चवथ.
बायल 3	:	हय तर गे बाये.
इस्क्रीव्हांव	:	येसको रामा नायक 200 रूपये, रामनाथ पंढरी घाडी पावणी पाचशीं, जैतू धर्मा तारी 1000 रूपया.
3 रो	:	मानशेचो पयसो.
4 थो	:	सुंगटांचो आनी शेवट्यांचो.
5 वो	:	आमी गरयेन कितले म्हूण गरयतले.
6 वो	:	आमी तामोशी काडूंक गेल्यार कोचो लागतात.
इस्क्रीव्हांव	:	तोळयो मळीक 20 रूपया पावता.
तोळयो	:	आमी बुंरांटेच खावपाचे.
4 थो	:	सवकास खा. कांटे लागत ताळ्याक.
तोळयो	:	कांटे गिळटना लागतात खातांना न्हू.
आपा	:	पुरो जालें. चल दाय पेटूल उघड.
दाय	:	(पेटूल उघडटा) आपा आपा पेटलांत पैशे ना.
इस्क्रीव्हांव	:	पेटूल फोडलें. पेटलांत पैशे ना.
सगळे	:	कितें....?
मसो	:	कोणें फोडलें पेटूल सांग पयली (दायक घट धरतात.)
आपा	:	दायक हात लावं नाका.
रमेश	:	तुमकां लावं हात. (आंगार धावता) कोणे पेटूल फोडलें सांग पयलीं. सोडच्चेना.
सुकडो	:	म्हाज्या घाडयाचे पयशे पचचेना. उखलून घालतलो सगळ्या देवांक. घट्टाण करतलो घराचें.
बायल 4	:	आतां म्हजी चवथ कशी जातली देवों (बेशुध्द पडटा)
बायल 2	:	आरे उदक हाडात बेगीन.
बायल 1	:	म्हाज्या निळ्या कोराचे वायल. म्हाजे सगळे पयशे गेले गे सायबिणी.

बायल 2 : म्हाजे धुवेक होंवसोवपाक जाय आसलें.

बायल 3 : बारा बारा चोवीस पिडयो पाड पडोव...

बायल 4 : चोवीस पिडयो बी काय न्हू आयचे आयज हांगा सगळे पैशे उबे जावंक जाय.

फटी : पालखी दारांतल्यान परथिल्या तो राग पैशांचेर काडलो. हेचें घरूच गावाभायर दवरूया.

आपा : म्हाजें आयकात... म्हाजें आयकात..

यशवंत : आयकात. खूब आयकलां तुजे. जाण्टो न्हू जाल्यार...

इस्क्रीव्हांव : एक चायी म्हजेकडेन आसा.

आपा : दुसरी चायी म्हज्या जानयाक आसली.

तोळ्यो : जानयाक चावी लावन आमच्या कानात घालूंक सोदता?

कृष्णा : आमच्या गळ्यान जानयें नासत पूण आमी जानयेकारांक सारके वळखतात. सोडचे ना आमी.

मसो : आयचे आयज सगळो हिशेब जावंक जाय.

जैतू : आयचे आयज सगळे पैशे मेळपाक जाय.

सदगो : आता म्हण मरे म्हातुड्ड्या आपलेकडले पैशे दितां.

आपा : हय हांव पळयता कशें जमता तें? दाय चल म्हजो ट्रंक घेवन यो. (दाय वता.)

बायल 4 : आंगे सायबिणी.. म्हजे पैशे चोरले गे बाये.. म्हाजे पैशे नागयले गे बाये.. आतां हांव कोणाचे तोंड पळोवं? हांव कशी करू चवथ देवा? हांव कशी बांदू पुजा देवा! म्हाजी आंगवणीची पुजा! देवा... म्हाज्या घामा कश्टाचो पै पैसो.. हायेन पोटाक चिमटो काडून गाठयलो पै पैसो.. नागयले रे देवा.. फटयले रे देवा चोरतल्याचे घट्टाण जावं रे देवा.. म्हाजी चवथ.. म्हाका कोणाचो आदार ना रे देवा (रडटा).

बायल 2 : आसू गे.. अशी भर चौखांब्यार अशी रडों नाका.. आनी

करूंया कशी तरी परब.

बायल 1 : हय आमी चार घरा भोंवया आनी भागोवया. पूण जेणी आमचे घामा कश्टाचे खाल्ले तेका पचोवं नाका.

बायल : आसा तर ती मांडार बसलेली देवी जाल्यार तेचो सोद घेव!

दाय : (येता) आपा.. तुजो ट्रंक थंय फोडलो...

आपा : कितें?

सगळे : कितें.. ट्रंक फोडलो.

बायल 5 : तुमचें कितें वयता.. एक ट्रंक फोडलो जाल्यार...दुसरो आसतलो. पूण म्हाजे नशीब व्हांवले गे सायबिणी.

यशवंत : ना आमी अशे सोडचे ना.

सुकडो : देवाच्या ह्या चौखांब्यार गाराणे घालुया.

बाबल : देवाक उबो करूंया आतांच्या आतां.

(इतल्यान मुंबयकार भाव येतात)

फटी : म्हाल घराकूच घरा भायर दवरूया.

रमेश : देवा कार्याक मर्णा बारायाक कोण वयतले न्हू.

कृष्णा : गांवचे पैशे नागयले ह्या घरान.

जाण्टो : म्हाजे जाणापरीक अशें केन्ना घडोवंक ना. घरूच गांवाभायरे करूया.

मदलो काका : रावात.. तुमी म्हालघर भायर दवरू शकनात.

धाकलो काका : म्हाल घराचेर आमचोय अधिकार आसा.

बाबल : फकत अधिकाराचीच शापातां सांगपाची तुमी. पैशे नागयल्या ते तुमी दितात आतांच्या आतां.

धाकलो काका : तुमचे पैशे विकासान चोरल्या आमी न्हू.

सगळे : कितें विकासान....

इस्क्रीव्हांव : खंय आसा विकास?

सुकडो : आनी खंय, आसतलो? त्या वयल्या वाड्यावयल्या

लफडयागेर.

बाबल : चलात रे हाडात तेका हांगा.

सगळे : चेचून मारात. पयली पैशे घेवंया.

आपा : हांव आता कितें करूं?

बायल 5 : कितें करूं? आतांच्या आतां फारीक करात.

बायल 4 : चवथी परबेक भरलेल्या गावाच्या तोंडांक पाना पुसतात. दोन दीस उरल्या चवथीक.

बायल 3 : व्हडल्या घराच्या वाश्यांक वायटी लागों.

मदलो काका : आमच्या घराक अशें म्हणू नाका.

इस्क्रीव्हांव : तुजे घर जाल्यार आतां गावाचे पैशे फारीक करात तुमी.

धाकलो काका : आमी शे पैशे फारीक करपाचे. खाल्या तेच्याकडल्यान घेयात.

मदलो काका : आमच्या घराण्याचे व्हडपण आमी कमी जाल्लें सोसचे नात.

धाकलो काका : आनी आमचे जोडीतलें कुस्कूट लेगीत दिवचे नात.

बायल 5 : तुमका सांगता हो सगळे पालखेचो बदलो. चला गे या आमी. दादले पळोवन घेतले.

बायल 1 : म्हाज्या घामाकश्टाचे पैशे खातल्यांक पचोंव नाका. घट्टाण जांव... खातल्यांचे. (वता)

आपा : रावात सांगतां. म्हजें आयकात. हांव तुमचे सगळे पैशे फारीक करतां...

धाकलो काका : खंयसून करतलो? चल दादा आमी या हांगासल्ल्यान. करीत तो भोंगीत... (वतात)

सदगो : आतां फारीक करतलो कितें. भावांनीच फाट दाखयली.

आपा : म्हज्या जाणापरीक अशें हांवे केन्ना केले ना. जाणात तुमी. कोणाचो पै पैसो नागयलो ना. बापायकडल्यान हांवे घर सांबाळीत सावन आयज मेरेन गांवाकडल्यान

शि थू करून घेतलें ना.

जैंतु : पुराणांतली वांयगी शाकेक उपकारनात. पैशांचे उलय.

सदगो : हय हय पैशांचे उलय.

सगळे : मारात तेका. (विकासाक मारीत हाडटात.). सोडूं नाकात.

मसो : सांग पैशे कित्याक चोरले?

विकास : हांवे तुमचे पैशे चोरूंक नात. म्हज्या बापायचे घेतल्या.

यशवंत : कोंफ्र म्हणजे तुज़्या बापायचो फांत.. (मारता)

नारू : तुका दिता बापायचो फांत घालपाक....

तोळयो : नागडो करून मारात.

जाण्टो : आरे चौखांब्यार मारूं नाकात.

सुकडो : मागीर कितें पुजा करू?

फटी : आरे पळयतात कितें मारा तेका. (मारतात) चला रे. (वतात) आयजपासून आपाचें घर गावांतल्यान भायर उपारवाडी बंद.

(विकासाक मारतात. तो मरून पडटा. शांत. पार्श्वभागार गीत.)

मानाच्या हो घरांत
अधर्माची करणी
तशी पडता गाराणीं
घरां घट्टाणार्ची...

(काळोख)

: प्रवेश - तिसरो :

(आपा आनी दाय सारी भरून येतात. म्हाल घरांत विवेक एकटोच बसला. वातावरण दुखेस्त.)

दाय : सगळे विस्काटले. घडोनये तें घडलें.

आपा : दाय खूब थकलो रे हांव.

मदलो काका : (भितर येवन) आनी आमी कितें मजा मारतात? आमीय थकल्यात तुज्याकडेन मागोन मागोन.

विवेक : आपसुवार्थी.

धाकलो काका : आमी न्हूं. तुजो बापूय आनी तुमीय म्हणून हें सगळें घडलें.

मदलो : हें घडपाचेंच.

दाय : वगी रावात सुतकांतले दीस आसात.

धाकलो काका : ओडून घेतलेलीं मर्णा तीं. लोकांच्या जीवार उठल्यात तुमी.

बायल : कितलीं वर्सां जालीं म्हाका हांवसोवपाक ना. म्हाजी म्हणून इत्सा आसली आनी आतां चवथूय उरली. कित्याक येवंक जाय घर घर म्हणून. ह्या घराक घरपण खंय आसा?

मदलो : ह्या घराकूच आतां घर घर लागल्या. केन्ना कोंसळत सांगू नजो. या आमी परथे. आमी आसा थंय बरीं आसात.

दोन वगताचें पोट तरी भरता.

आपा : परते? खंय? ना तुमी वचों नाकात आतां रावात ह्या घरांत.

धाकलो काका : रावात कित्याक? घर माथ्यार घेवन मरपाक, जाण्ट्यांचो मान होगडोवपाक? तुमी पूर्वजाक लेगीत खाले.

दाय : रावात, ह्या घराक जाग हाडपाक शेतां भाटां सांबाळपाक गोरवां.. वासरां. शेण गोठो पळयात. हांव काडून दितां तुमका. पयले धारेचें दूद. हांव मळून दितां तुमकां मुट्ट्याचो निरो कोळंबेर! निर्मळ निरो! हांव पुंजावन हाडटां देवाच्या जांबळीची जांबळां. तुमी घराक रावात.. अशी सैर भैर जावं नाकात. सगळीं एकठांय रावात.

विवेक : ह्यो सगळ्यो मोहाच्यो गजाली. तात्वीक अर्थ ना.

मदलो काका : तुमचो मोह आनी म्हाेंव तुमीच खायात. जमनीसकट कागदांय खायात. म्हाका आतां हे मातयेचोच वीट आयला.

धाकलो काका : खायात कित्याक? जो मेरेन घरादाराचे भाटा - बेंसाचे वांटे जाता हें आमका कळाना तो मेरेन हांव हांगा येवचो ना. आनी म्हज्या जाण्टेल्यांकूय हांगा दवरचो ना.

दाय : हांव सांगता तुमकां उपकार करून आनीक घराची वांटणी करू नाकात. घर सांबाळात. भरलेली मठी ही पुर्वजांची.

मदलो काका : तूं कोण रे आमकां सांगपी घर सोडूं नाका म्हूण. तूच 35 वर्सां जालीं ह्या घराक पडला मरे राखणो जावन?

धाकलो काका : तुकां तुजें घरदार न्ना. तू वाऱ्यावयलो कुत्रो. आमच्या उश्ट्याचेर जगला आनी आमचेर भोंकता आतां. तुका अधिकार ना. कोण रे तूं? खंयचो रे तूं?

दाय : अधिकार आसा म्हाका. पुराय अधिकार आसा. 35 वर्सां पयली म्हाजेंय घर आसलें. तुमच्या ह्या घरापरस 5 पटीन व्हडलें. 36 कुडीचें, 51 पाट्यांचे पुर्वजांचे. गांवचें म्हालघर आनी पिरायेच्या ऐन उमेदीर हांवेय घर सोडलेंलें.

म्हज्या घराची वळख करून दिवपाक. हांव गेल्लो मुक्तीच्या झुजात जुलमी राजवटीआड आवाज उठोवपाक. हांवे सत्याच्या मार्गान कार्य केलें. झुजलो हांव. आमी स्वतंत्र जाले आनी हांव घरा गेलो. पूण घर म्हाका वळखोवंक तयार ना. भितर घेवपाक तयार ना. हांवे म्हाजें नांव स्वातंत्र्य सैनिक म्हणूनय लावंक ना. स्वातंत्र्यापासत नावां लावपाक हांव झुजोवंक नासलो. म्हाका लाचारी नाका. स्वाभिमान जाय. म्हणून स्वाभिमानान हांव गोरवां राखता फाटलीं 35 वर्सां. म्हाजें नांव गोरवांच्या गोठ्यांत आसा. म्हाजो गाज रानांत घुमता. म्हाका तुमचो इतिहास वळखना जायत. तुमी वळखना जायत, पूण म्हर्जी गोरवां वळखतात. गोरवां दांयार येयलीं काय म्हजें घर भरलें. म्हजें पोट भरलें. मन भरलें. (गोठ्यांत वता) यो.. यो.. यो.. यो.. (वता)

आपा : तुमकां कोणाक अधिकार ना दायक एका उतरान उलोवपाचो.

धाकलो काका : तें तर दिसतातूच न्हूं. आमकां म्हणून खंय आसा हें घर आनी अधिकार.

विवेक : म्हाका म्हणून जाय हें घर! म्हाका म्हाज्या राष्ट्राबांदावळीचें कार्य आसा. म्हाका असो तुमच्या फाजील किजीलांत रावपाचें ना.

आपा : राष्ट्र उबारपाक भायर सरला. पूण घराचो नळो फुटला तो दिसाना.

विवेक : हांगा मळबाकूच बुराक पडल्यांत. म्हाका आतां काय नाका तुमचें. तुमीच घेयात पोटार...(वता)

आपा : दिसान दीस तुजें मळब मोटवें जायत चल्लां...

बायल : चल या आमी. म्हाका हांवसोवंक ना ह्या घरान आजून. आनीक ह्या घरांत रावपाची इत्साच ना. घरादाराचें भाटाबेसाचे वाटे जातले तेन्नाच ह्या घराक येतली.

आपा : होंवसोवक ना. होंवसोवक ना म्हणटा तूं. ते कोणी हांवे होंवसोंवपाचे? फाटलीं बारा वर्सां जालीं तुजी जाव भायर पडल्यार आनी तुका लगीन जाल्ल्याक फाटल्या बारा वर्साक कितलो तेप तू घरान येवन रावली. हे देव हे जाण्ट्यांचे दांब. हो घरांतलो शेण शिताडो बायलेन करचे आसता. घराक बायल आसल्याशिवाय घरपण खंयचे? तुमी सांबाळपाचें हें सगळें. कोण सांबाळटलो? कोण सांबाळटलो? सगळे रिकामे रिकामे जावंक लागलां. ह्या म्हाल घराच्या पाश्टार वायटी लागपाक लागल्या. घरांतली जमीन शेणाक वसवसल्या. बायलांच्या काकणांच्या आवाजाक आशेल्यात. तुळस काजाळ कुकमाक रावल्या. तेलवात कोण करतलो? भुरगीं आपआपल्याक ज़ाय तशीं भरकाटलीं. कोण घराक मानीना. जाण्ट्यांक मानीना. म्हाळ श्राध्द घालीना. कोण जाण्ट्या पूर्वजांक न्हाण घालतलो? वाडी दाखयतलो? घर सांबाळटलो? म्हाज्यान जायना. हें सगळें झडलें. हांव खर्शेलो. पूण हें घर उरोवंक जाय. ह्या घराक एक म्हयमा आसा. जाण्ट्यांनी खुटी मारून मठी जोडल्या. ही ही मठी सांबाळुया. हें पेटूल परथून भरपाक जाय विश्वासान भरपाक जाय. गावांक एकठांय करूंया.

मदलो काका : आतां आमी खीणभर लेगीत हांगा रावचे नात.

धाकलो काका : आनी आमचे जाण्ट्यांचे दांबूय ह्या घरांत दवरचे नात. हांव व्हरतलो दांब म्हाज्यावांगडा. ह्या भश्टल्ल्या घरांत आतां म्हाजे जाण्टे रावचे नात. (भितर वता)

दाय : (येता) आपो गोरवां गोठ्यांत येवंक ना. .... एकलेंय ना.. आपो गोरवां येवंक जाय आसलीं गोठ्यांत. (गोठ्याकडे वता.)

मदलो : आमी ह्या घरांत आतां येवच नात.

आपा : घर सुतकातलें आसा, घर सोडून वचूं नाकात.

धाकलो काका : (येता) हे पळय दांब.. हांव व्हरता.. तुका दिसता खंयतर. तुजे दोळे फुटले न्हू रे. तुज्या दोळ्यांत देखत सगळे पडले आनी उरलो प्रस्न सुतकाचो. तुजे सुतीकूय आमी मोडले. वयता थंय आमी कशेय रावन. भीक मागोन रावन पूण अशे न्हू.

बायल : चल या आमी.

दाय : (येता) आपो गोरवां गोठ्यांत येवंक ना. गोरवां येवंक जाय आसलीं. गोरवां आडेकात्रान वचाना जाल्यार पुरो.

धाकलो काका : आमी परथून ह्या दाराक पांय लावचे नात.

बायल : म्हाका ह्या घरान व्होवसोवंक ना.. म्हजो भौमान करूंक ना. म्हज्या कपलाक तांदूळ लावंक ना.

आपा : घर सोडून वचो नाका... घर सांबाळात.. हें पेटूल तुमी सांबाळात.. घराचें घरपण.. जाण्ट्याचें दायज.. जाण्ट्यांचे दांब.. व्हरो नाकात. म्हजे मूळ ते, म्हजें कूळ तें, आमचें कूळ व्हरो नाकात.

दाय : गोरवां म्हजीं, गोरवां शिवाय हांव जगोवंक शकना. गोरवां आडवणान वचाना जाल्यार पुरो. त्या आडवणान गेल्लीं गोरवां परथून येनांत आपो.

आपा : हांवे तुमकां नागोवंक ना. हांवे गावां फटोवंक ना. हांवे घर सोडूंक ना.

दाय : हांवे गोरवां सांडूंक ना. हांवे गोठो सोडूंक ना. गोरवां वांगडा गोरवांच्या गोठ्यांत म्हाजी वार पुरल्या. फाटलीं 35 वर्सां हांये गोरवां राखल्यांत. गोठो सांबाळ्ळा. आपो.

आपा : अशीं गाव सोडून वचो नाकात.

दाय : म्हजीं गोरवां हांव सोडोवंक शकना. म्हाका गोरवां जाय आपो.

आपा : मठी, खुटी, पेटूल सगळें दवरात. सांबाळात हें घर तुमचें.

हो गांव तुमचो.

धाकटो : खुटयो कापताना तुज्या काळजाक चर्रर जालेंना. आनी आता खुटयांच्यो गजाली करता. कोणाक नाटकां करून दाखयता.

दाय : आपो, ह्या गोरवा खातीरूच हांव जगलो रे. मोन जातीची माया कितें आसता ती जाणा हांव. घे.. घे गोरवां आडवणात वचाना जाल्यार पुरो.

आपा : घर सोडून वचूं नाका. सगळें तुमचें.... घर दार भाट बेंस. सांबाळात. रावात घराक.

धाकलो काका : घे तुज्याच पोटार. आमकां नाका (धुकलता)

बायल : (घोवाक) येयात या आमी. कितें तोंड उकतें घालून पळयतात? (वतात)

दाय : म्हार्जी गोरवां, म्हाजो गोठो, म्हाजें रान, म्हाका जाय (रडटा) म्हाज्या गोरवां बगर हांव जगूंक शकना. (यो यो यो यो म्हणीत वता)

आपा : म्हार्जी मनशां, म्हजें घर, म्हजें भाट, म्हजें कूळ म्हजें पेटूल.. म्हाका जाय.... यो यो (भ्रमीश्ट जाता..)

प्रसंग बदलता (फ्लॅशबॅक)

(पयलींचो प्रसंग परथून)

जाण्टो : (भुरगे एकठांय जाल्यात. वातावरण बदल्लां. गंभीर...) आनी पोरांनो तो तेपमेरेन ह्या वगतारपासून.. जायतीं वर्सां जालीं. देयी येता वयता. म्हाल घराच्या घट्टाणाकडेन पावतुकूच देयी आजुनूय थंय पाय लायना. आखाण्यानी

धांवता. पळयल्यात तुमी सारकें? देयीचें उतार तें नेगार कशें वयतलें. धा जाणांचे उतार आनी धा जाणांचे पैशे केन्ना खावचे न्हूं. पचाना तें ह्या चौखांब्यार पच्ची जाली. खुनां पडलीं. आजनेरी जाली. चौखांब्यार ह्या कांय उरलें ना. कोण जैपतीक येयलो ना. घट्टाण जालें. म्हाल घराचें. चौखांब्याचें.. (अस्वस्थ)

भुरगो : आतां आपाचें कितें?

जाण्टो : उरल्या आसतली आशा. कोणाचेर तरी. निमाणे मनश्याचो जीव तो उरता कोणाचेर तरी! कर्मांचो भोग कोणीतरी भोगचो पडटा.

तो : (येता) विवेकाचे बाबा इथे कुठे भेटतील? (लोक आबूज. तो म्होडला, अपंगूळ जाला)

जाण्टो : (नियाळटा) पूता.. तूं... तेन्ना.. विवेकाचो इश्ट. तेन्नाचो...

तो : हय, म्हाका विवेकाचे बाबा जाय. तांचे घर खंय...?

जाण्टो : घर ना घट्टाण आसा.. पूण तुका कित्याक?

तो : एक निरोप आसलो. विवेक आमच्या शारातले दंगलीवगतार सोंपलो.

सगळे : कितें?

जाण्टो : आरे.. रे... चलात. आपाक खबर कळोवंक जायी... आपो, आपो ऽऽ..

(लोक आपाक सांगपाक म्हणून वता. जाल्यार आपा थंय ती गजाल आयकून घट्ट जाला. लोक आपाच्याच आंगावेली गोदडी घालून मडे धांपतात. पार्श्वभागार गीत.)

मानाच्या हो घरांत
अधर्माची करणी
तशीं पडता गाराणीं
घरां - घट्टाणाचीं

(सोंपता)

प्रकाश रमाकांत वजरीकार

जल्म : ता. 3 जानेवारी 1966 वर्सा, गोंयांतल्या दिवचल म्हालांतल्या वजरी-सांखळी हांगासर.

मराठी-कोंकणी, तत्वगिन्यान विशय घेवन एम.ए. ची पदवी जोडल्या. सरकारी महाविद्यालय, खांडोळे-माशेल हांगासर व्याख्यातो - कोंकणी विभाग प्रमुख म्हण वावुरता.

कोंकणी तशेंच मराठी नेमाळ्यांनी समीक्षणात्मक आनी ललित लेखन केलां. आकाशवाणी पणजी आनी दूरदर्शन केंद्र पणजी हांचे खातीर लिखाण आनी सादरीकरण केलां. राष्ट्रीय परिसंवाद, संमेलनानी पेपर सादर केल्यात.

उजवाडाक आयिल्लें साहित्य

1. कथा परिक्रमा (कथा संग्रह-संपादन)
2. रतन आबोली (कविता संग्रह-संपादन)
3. कारबारी कोंकणी (सह-संपादन)
4. आनी एक बुटो फुल्लो (नाटक)
5. घट्टाण... कोणाचें ? (नाटक)

पुरस्कार आनी गौरव

- गोवा कला अकादमीच्या राज्य थरावयल्या कोंकणी नाट्य-सर्तिनी नाट्य लेखनाखातीर लाबिल्ले पयले पुरस्कार: आनी एक बुटो फुल्लो (2000), घट्टाण...कोणाचें? (2001), काणी तशी जुनीच पूण...(2002), साद अंतर्मनाचो (2003), आनी एक प्रश्नपर्व (2004), इथे इथे पाणी (मराठी - २००६)
- कोंकणी भाशा मंडळाचो साहित्य पुरस्कार : आनी एक बुटो फुल्लो (2005)
- गोवा कोंकणी अकादेमीच्या वावुरपी मंडळाचो वांगडी (2002-2005 आनी 2005-2008)
- सातव्या कोंकणी युवा संमेलनाचे अध्यक्ष, नावेली, साश्ट - गोंय 2006.